कुळागर

डिसेंबर १९८९

कुळागर

डिसेंबर १९८९

वर्स : ११

आंक : १२

ह्या आंकाचे मोल : २ रुपया

वर्सुकी पटी : २५ रुपया

संपादक :

नारायण वादोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :

अनिल पै

छापणावळ :

एस. जे. हुंद्रे

रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली,

बेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :

चंद्रकांत केणी

कुळागर प्रकाशन, पो. बॉ. नं. ७८

मडगांव-गोंय-४९३६०१

मांडावळ

अपघात / डॉ. भिकाजी घाणेकार / २

म्हजो भाव : जवाहर / सौ. कृष्णा हाथीसिंग / ३

श्रद्धांजली / रामनाथ गजानन गावडे / ९

अेवजीन ओ-नील–
आधुनीक दुखांतिकेचे नाटककार / डॉ. ओलिव्हीन्य गोमिश् / १३

अे लीफ्ट / एन. शिवदास / १७

घुसमट / कु. सुफला शंभू किर्तनी / २०

लोकनीती / राम बाळकृष्ण प्रभू चोडणेकार / २१

व्हंकल पावणी – एक नियाळ / प्रा. उल्हास पै भाटीकार / २३

तो, माजर आनी बैल / शशांक सीताराम / २६

ह्या अंकांत परगटायल्लीं मतां त्या त्या बरोवप्यांलीं. हातुंतले, बरपावळीचो उपेग करचो जाल्यार बरोवप्याची लेखी मान्यताय घेवप गरजेचें.

अपघात

– डॉ. भिकाजी घाणेकार

अपघात म्हळ्यार जें घडूंक जाय नाशिल्लें अशें किदेंय घडप आनी ताजेपासून मनशाक कुडीक बाधा जावप, मरण येवप वा घरादाराक वा वस्तू वाट लागप. चडशे अपघात टाळपासारके आसात.

काळजाचीं दुयेंसां आनी कॅन्सर सोडलो जाल्यार उदरगत सादिल्ल्या देशानी अपघाताक लागून चड प्रमाणांत मरण येता. आमच्या भारत देशांत अपघातांचें प्रमाण दिसान दिस वाढत आसा.

अपघातांचे प्रकार :–

१) रस्त्यार जावपी अपघात– सगळ्या अपघातांचे $\frac{1}{3}$

२) घरांत भितर जावपी अपघात– चड प्रमाणांत भुरग्यांक

३) कारखान्यांनी जावपी अपघात– तशेंच मिनाचेर जावपी

४) विमानानी जावपी अपघात– तांच्या आंकड्यांप्रमाणे बाढत आसात.

५) आत्महत्यांचे प्रकार.

अपघातांचीं कारणां :–

I) भोंवतणचीं– उजवाड उणो आसप, निसरट वा पोन्नी 'इस्काद–सोंपणां,' चड तेंपाचीं वाहनां (मोटारी, स्कुटर, सायकल आदी).

II) मनशाक लागून– बलायकी बरी नासप, नदर उणी जावप, आयकूंक उण्या प्रमाणांत येवप, पांगळेपण, आदी तशेंच सोरो पियेवप, वखदां घेवप, पुरो जाल्लें आसप, राग आइल्लो आसप, भंय दिसप, कामाचो ताण येवप आदी.

पिरायेच्या बाबतींत पळेत जाल्यार चडशे अपघात भुरग्यांक आनी जाण्टयांक जातात. मदल्या पिरायेचेर अपघात जावपाचें प्रमाण खूब उणे आसता अशें दिसून आयलां.

अपघात टाळूंक जातात. ते टाळपाक किदें करूंक जाय तें पळोवया :–

१) शिकप– रस्त्यार कशें चलचें, मोटार वा स्कुटर सारकी कशी चलवची, कारखान्यांनी साबार तरेचीं यंत्रां कशीं वापरचीं हाजें सगळ्यांक शिकप दिल्यार अपघात उणे जातले हातूंत इल्लोय दुबाव ना.

२) अपघाताचीं कारणां पैस करप– देखीक रस्ते सारके करप, वेग (मोटारींचो, स्कुटरींचो, ट्रकांचो आदी) प्रमाणावर हाडप, रस्ते जंय चड प्रमाणांत अपघात जातात थंय सुरक्षीततेचे बोर्ड लावप, उजो लागल्यार फाव ते उपाय घेवपी तज्ञ मेळोवन दिवप, वखदां, शेतांतलीं सारीं, वखदां आवदां बऱ्या व्यवस्थीत जाग्यार दवरप. (भुरग्यांच्या हाताकोन दवरूंक जायना).

३) तात्काळ प्रथमोपचार दिवपाची व्यवस्था करप.

४) संशोधन– अपघात कशे जातात, किदयाक लागून जातात, खंय जातात; चड प्रमाणांत केन्ना जातात हाचें संशोधन करून ताजेर फाव ते उपाय घेवप.

आमच्या गोंयांत इलें इलें अपघातांचें प्रमाण वाढत आसा. उदरगत जाता तशी तशीं हें प्रमाण वाट्टलें हातूंत दुबाव ना. मोटारी, स्कुटर, हांचोय आंकडो दिसान दिस वाट्टा. मोटारी पणजेंत दवरपाक जागो नासता अशें म्हळ्यार अतिताय जावंचो ना. रस्त्याच्या कडेक पासयो आसतात त्यो सारक्यो नासप. हाका लागून जे मनीस चलतात ते पासयेवेल्यान चल नासतना रस्त्यावेल्यान चलतात. जे कांय भोंवडेकार गोंयांत येतात, ते लक्ष दिवन रस्त्यावेल्यान चलनात हेंय एक कारण जावंक शकता. घरां आनी दुकानांचीं नांवां सोदता आसतना एकेक फावट भुरग्यांचेर तीं सारकीं लक्ष दिनात.

शाळा आनी स्कुलां सुट्टात तेन्ना भुरग्यांची गर्दी जाता. त्याच वेळार ऑफिसां सुट्टात आनी अशेतरेन रस्त्यार गर्दी जाल्यान अपघात जावपाची शक्यता वाट्टा.

जे तरणाटे स्कुटरी चलयतात तांचो वेग खूब आशिल्यान अपघात जावंक शकता. जे मोटार सायकली भाडयाक आसतात ते खूब 'फास्ट' चलोवन वेग वाढिल्यान अपघात जावपाचें चुकवप कठीण जाता. दोन वहानांमदीं अंतर उणें दवरलेल्यान अपघातांक आमंत्रण जावंक शकता. एकाच स्कुटरीचेर घोव, बायल तीन भुरगी आनी एकेक फावट चौथें पोटांत आशिल्ल्या स्कुटरीचो 'कंट्रोल' वचून जखम जावंक शकता. वहानांचो 'ब्रेक' सारको नासल्यारूय अपघात जावन हॉस्पीटलांत पावंक शकता. पयल्या पावसार चड काळजी घेवन वहान चलोवंक जाय. रस्त्याचेर 'ऑइल' (तेल) पडिली असल्यारूय ताजो परिणाम अपघात जाता हेंय लक्षांत दवरूक सारक्या उण्यावेगान चलोवंक जाय. रस्त्याचेर जे साबार तरेचे 'बोर्ड' वा 'सिग्नल' वा तकटे आसतात ते सारके आसप, ताजेर वहानां चलोवप्यानी लक्ष दवरप, आदी चड गरजेचें आनी म्हत्वाचें. मोटार वा स्कुटर चलयतानाच सिगार ओडप, वा पियेवन चलवप ह्या कारणांक लागून अपघात जातात हेंय विसरूंक फावना.

–✠–

म्हजो भाव : जवाहर

– सौ. कृष्णा हाथीसिंग

सुमार अिकरा वर्सां जवाहर आवयबापायचो एकलो एकसुरोच चलो आशिल्लो. ताजें खूब कोडकौतुक जातालें. आवयचो तर तो खूबच लाडाचो आसलो. तो शाळेंत केन्ना गेलो ना. त्या त्या विशयांतले जाणकार मास्तर ताका घरा येवनच शिकयताले. कितलीशींच वर्सां ताका भाव वा भयण नाशिल्ल्यान तो एकटो एकसुरोच आसलो. बापुयय ताजे खूब लाड करतालो. पूण बरी गजाल म्हळ्यार तांकां स्वताक शिस्तीन वागप मानवतालें. ताका लागून जवाहराचे फांव तेच लाड ते करताले. तांच्या शिस्तीक लागून जवाहर गर्विष्ठ वा अहंकारी जावंक पावलोना.

ल्हानपणासावन जवाहराक बापायविशीं खूब आदर आसलो. जें जें बरें, जें जें धीराचें आनी धिटायेचे त्या सगळ्यांचें एकवटिल्लें रूप म्हळ्यार आपलो बापुय अशें जवाहराक दिसतालें. बापायसारखो जावप हीच ताजी एकलुकी महत्वाकांक्षा आसली. बापायविशीं आदर आनी प्रेम ताजे मनांत आसलें तरी तो तांकां भितालोय बी. तांच्या रागाची ताका सदांच भिरांत दिसताली, एक फावट ताका तांच्या रागाचो अणभव आयिल्लो. स्वता तोच तांच्या रागाच्या झपाट्यांत सांपडिल्लो. आनी ती याद सोंपेपणान पुसून वचपासारखी नासली. पूण ते गुन्याव नासतना रागार जावचे नात आनी ख्यास्त भोगोवचे नात हाजी आमकां पुरायेन खात्री आसली, पूण फुडें फुडें वयोमानाप्रमाणे तांचो राग उणावत गेलो. आपणाली रागीश्ट वृत्ती तांणीं आपल्या ताब्यांत हाडली. मदीं मदीं तांची रागीश्ट वृत्ती दिसताली, मनांतसून तांकां राग येतालो, तरी पयलीं सारखो राग वेळेवयर उचांबळून येना आसलो.

अशा वातावरणांत जवाहर वाढलो. लजेस्त, हळव्या मनाचो असो भरगो तो आसलो. बराबरीचे सवंगडे ताका नासले. ताका लागून तो जाण्टचांमदींच चडसो मिसळटालो. पिरायेच्या चौदाव्या वरसाच तो हॅरोक गेलो. केंब्रिजाक शिकप पुराय करून १९१२ वर्सा भारतांत परतो आयलो तेन्ना हांवें ताका पयलीं पळयलो. १९०८ वर्सा सुटयेंत घरा आयिल्लो तेन्ना ताणें म्हाका पळयिल्लें.

कितलींशीं वर्सां म्हजो भाव म्हाका परकी कसोच दिसतालो. केन्ना हांव ताजी माया करतालें, केन्ना ताजेविशीं म्हाका आदर दिसतालो तर केन्ना केन्ना ताजो म्हाका रागय येतालो; केन्ना केन्ना तो म्हाका सामकोच आवडना अशें जातालें. पूण कांय वर्सांनी जेन्ना सत्याग्रह चळवळ सुरू जाली आनी जवाहरान राजकारणांत उडी घेतली. तेन्नासाकून म्हाका ताजें इल्लें इल्लें रूप दिसूंक लागलें. आंनी जसजसो ताजो सबाव म्हाका कळून येवंक लागलो तसतसो ताजेविशींचो म्हजो आदर वाढत गेलो. हो म्हजो भाव गर्विष्ठ अशें तेवेळार म्हाका दिसतालें. पूण आतां म्हाका ताज्या सबावाचें खरें दर्शन जालें.

व्हडलो भाव कसो आसलो हाजी देख जवाहरावेल्यान घेवंची, म्हजी भयण आनी म्हज्यापरस तो पिरायेन इतलो व्हड आसूनय ताणें केन्नाच आमचेखातीर नेम करूंक नात. अशेंच वागूंक जाय, तशेच करूंक जाय अशें हेर भावांसारखें ताणें केन्नाच केलें ना. आमी कितेंय केल्लें ताका मानवलें ना जाल्यार मोव उतरांनी, शाणेपणाचें धोरण आपणावन आमचेकडेच तो चर्चा करी आनी आमी खंय चुकल्यांत हें तो आमकां दाखयी, आनी मागीर आमचीच चूक जाल्या हें आमकां कळून येतालें. ताचें सांगणें समजा, आमकां पटलें ना आनी आपणाक दुखयिल्ल्यासारके ताका मनांत दिसलें तरीय तो तें दाखोवन दिना आसलो आनी स्वताचीं मतां आमचेर थापी नासलो. स्वरूपाचो आनी म्हजो पूज्य असो तो व्हडलो भावच न्हय तर तो आमचो व्हडलो मित्र, मायाळू सवंगडी. ताजें मोल आमच्यांनी करूंक जायना अशें दिसता. ताजी आमचेर कितली माया ! आमकां समजून घेवपाची ताजी वृत्ती ! जेभशेन बापायचो आमकां आधार दिस तसोच जवाहराचो दिसता. संवसारांतल्या चिंतनांनी, उतळतापांनी आमी केन्नाय डुलपलीं जाल्यार आमकां धीर कोण दिता ? जवाहर. तो धीर दिता. ताजें बळ हिमालयायेदें. धैर्याचो महामेरू तो. तो आमचो आधारस्तंभ. या खांब्याक तेंकून बसलें कीं आमच्यो सगळ्यो चिंता ना जातात. निर्धास्त दिस्ता. तो

उपदेश करीत बसना तर ज्या ज्या वेळार मदतीची, वाट दाखोवपाची गरज आसता त्या त्या वेळार मदत दिवपाक फुडें येता. आमकां हांसत, आमची फजेत जायत हाजी भिरांत बाळगी नासतना आमच्या काळजांतल्यो गजाली आमी ताजे सामकार उक्तायतात. दोळे घांपून ताजेर विस्वासून, विस्वास दवरपा सारखोच तो. स्वता भावनाप्रधान आशिल्ल्यान दुसऱ्याच्यो भावना तो सहज समजूंक पावता.

बापायच्या मर्णाउप्रांत जवाहराक आवयलो नी म्हजो सदांच हुस्को दिस. स्वरूपाचें लग्न जाल्लें. तिका स्वताचें घर आसलें. आमच्या ल्हानशा घराब्याचो जवाहर आतां मुखेल आसलो. पूण हिंदू घराब्यांत आसता तशें म्हाका आनी आमच्या आवयक आतां आमी फकत जवाहराचेर आदारून आसात अशें दिस नये म्हूण तो खूब जपणाय घेतालो. आमकांय केन्ना दिसलें ना आमी आतां दुसऱ्याचेर अवलंबून आसात अशें. आतां जवाहरच आमचें सगळें. पूण आमी एकादेक तशें समजत अशें ताका दिसलें. बापायन मृत्युपत्र केलें नाशिल्लें. आनी ताणीं तें करचें अशीय आमी तांचेकडच्यान अपेक्षा केली नासली. तशें करप हें तांच्या सबावाच्या सामकें उरफाटे जातलें आसलें. पूण जवाहराक मात आतां कांय गजालींची चिंता जावंक लागिल्ली. बापुय आशिल्लो तेन्ना हांव ज्या मेकळेपणान वावुरतालें तशें आतां वावुरचे ना, पयशांची गरज लागली तरी मागचें ना, अशें ताका दिस. म्हूण ताणे म्हाका एक पत्र बरयलें. हांवे आनी आईन आनंदभवनाचे आनी बापायन जें कितें हेर दवल्लां ताजे स्वता मालक समजुचे अशी इत्सा ताणें पत्रांतल्यान परगटायल्ली. एक विश्वस्त म्हूण तो आमचो कारभार पळयतलो. विश्वस्त ह्या नात्यानच आपल्याकडेन पळयात अशें ताणें बरयिल्लें. पत्रांत ताणें अशेंय आनीक बरयिल्लें कि, 'म्हाका आनी म्हज्या घरच्यांक व्हडलीशी गरज पडची ना. तेन्ना आमी पयलीं-सारखीं एकठांय रापंक पावतली : तातूंत संकोच करपाची गरज ना. गरज पडटा तेन्ना हांव तुमकां फकत मदत आनी मार्गदर्शन करपाकच हांगा आसां अशें तुमी समजात.' असो वागपी भाव संवसारांत मेळप कठीण अशेंच म्हाका तें पत्र वाचून दिसलें. हें सगळें ताकाच सोबून दिसपाचें. स्वताच्या ध्येयाप्रमाणे तो वागता. आपल्या ध्येयापासून तो केन्नाच पयस वचना. जवाहराचो हो विशेश गुण. ताजे सामकार एक आदर्श आसता. त्या आदर्शाप्रमाण तो वागता हीच मोठी गजाल.

बापायभशेनच जवाहराकय रोकडो राग येता. हांव चौदा बर्सांचें आसलें तेन्ना जवाहर म्हाका गणित शिकोवंक लागलो. ताणेंच आपुण जावन म्हळें, 'हांव शिकयतां.' गणित म्हळ्यार म्हाका एक न समजुवपासारखी गजाल. म्हजी तकली पिकार जाताली गणित म्हळ्यार. जवाहर म्हाका आतां गणित शिकयतलो म्हूण हांव आनंदान नाचूंक लागले ना. पूण ताणे आतां आपुण शिकयतां म्हळेंच जाल्यार नाका कशें म्हणपाचें ? त्या भानगडींतल्यान सुटपाक वाट नासली. त्या वेळार जवाहराक हांव मात्शें भियेतालेंच. म्हजेर तो तापचो हें पळवपाची म्हाका इत्सा नासली. आमचें शिकप, शिकवप सुरू जालें. पयलें कांय धडे खूब बरे जाले. जवाहर कितलें बरें समजायता, कितलें बरें शिकयता अशें दिसूंक लागलें. ज्या विशयाचो हांव मनापसून तिरस्कार करतालें तोच विशय खूब अप्रूपाचो दिसूंक लागलो. त्या विशयाची म्हाका आवड निर्माण जाली. बेजार हाडपी गणित विशय म्हाका काव्यासारखो सुंदर दिसूंक लागलो. एक वरभरच जवाहर शिकयतालो. तें वर केन्ना येता अशें म्हाका दिसूंक लागलें. पूण जवाहराविशींची भिरांत जितली कमी जावंक लागली, म्हाकाय स्वताविशीं विश्वास दिसूंक लागलो. इतल्यांत कितें तरी बिघडलें. एक दीस म्हजें मनच लागना जालें. त्या दिसा म्हाका कशेंशेंच दिसतालें. म्हजें मन अभ्यासांत एकाग्र जावंक पावलेंना. कितेंच लक्षांत उरना, याद जायना, येवजना. हाका लागून जवाहर तापलो. (ताजो तरी कसलो दोश ? हांव ताका दोश दिना.) तो तापूं लागलो. ताजो तो खवदाळिल्लो नरसिंह अवतार पळोवन म्हजे तकलेंतलें आस-नाशिल्लेंय गेलें ! कित्याचेच उत्तर दींवक येना जालें म्हज्यान, ताणें तापून कांय प्रस्न विचारले. आनी भिरांतेन म्हजो दांतखीळ बसली. हांव मोने जालें. म्हाका कित्याचीच जाब दीवंक येना जालें. म्हजी अक्कल गेली. बुद्द जणूं कितें मेळी. म्हाका मेल्ल्यासारखें दिसूंक लागलें. हांव तकीत जाले. म्हाका उतर फुटना. हांव थंयसून वचूंक उठलें. एकाद्या धडयाची याद जायना जाली हो कितें खूब मोठो गुन्यांव ? एकाद्रे वेळार याद जायना त्या गजालीची. म्हजें मन जशें काय दुखावलें. म्हजे दुख्ख दोळ्यांसामकार उबें रावलें. हांव म्हज्या दोळ्यांतसून व्हांवपी उदक आडायतालें. पूण भीतभीत पुस्तकां एकठांय करताना दोळे भरून आयलेच. आनी म्हजीं दुकां पळोवन एका खिणांत ताजो राग गेलो. ताका वाट दिसलें. पश्चाताप जालो ताका. म्हाका म्हऱ्यांत घेवन ताणें चुकलों म्हळें, क्षमा मागली. पूण त्या प्रसंगाउप्रांत ताणें कितलेंय सांगलें, कितलीय खटपट केली तरी परतें म्हण हांव ताजे म्हऱ्यांत शिकूंक गेलें ना. म्हजें मन वळवपाची तो शीकस्त करी. पूण हांव नाच गेलें.

राजकारणाखेरीद, तेचभाशेन बरवप-वाचप करपाखेरीज जिणेंत दुसरी कसलीय गोडी जवाहराक ना अशें ताका सारखें वळखनाशिल्ले लोक समजतात. पूण ही गजाल पुरायेन खरी न्हय. ह्या गजालींनी ताजो चडसो वेळ वता खरो; पूण दुसरेय ताजे आवडीचे छंद आसात, खूब नाद आसात. पूण इत्सा आसूनय त्या दुसऱ्या गजालींकडेन, हेर छंदांकडेन ताका जायतो वेळ दिवंक मेळना ! राजकारणांतल्यान उरिल्लो वेळ तो वाचपांत खर्चिता. केन्ना केन्ना बरवपांतय. पूण बरवपाचें काम चडसो तुरुंगांतच करता तो. घोडयार बसप ताका आवडटा. एक बऱ्यातलो घोडेस्वार तो. पोंवराचीय आवड आसा ताका. पूण पोंवपाची संद ताका मेळप कठीणच. नाटक-सिनेमाक तो चडसो वचनाच. आमी आग्रोच केलो जाल्यार आनी सिनेमा वो नाटक खऱ्यांनीच बरें आसलें जाल्यार तो येता. आवडीन पळयताय. पूण जवाहराचें उकतें काळीज जेन्ना तो भुरग्यांमदीं आसता तेन्ना पळोवपाचें. भुरगीं, मागीर खंयच्याय पिरायेचीं जायनात, ताका तांच्या पिरायेचे पडून गेलें ना. भुरगीं

ल्हान आसूं वा व्हड आसूं, तो तांच्यांत रमतां, फुलता. भुरग्यांची ताका खूब आवड. आनी भुरगींय ताका जीव-प्राण करतात. तो कितलोय कामांत आसलो, वो कितलेंय पुरो जाल्लें आसलें ताका, तरीय एकाद्रें भुरगें येवन हे अशेंच कशें, तें तशेंच कित्याक अशें विचारून ताका सतायलें तरी तो त्या भुरग्याचेर तापचो ना. रागार जावंचो ना. रागान ताका धांवडावचो ना, लाग चलूंक हांगासल्लो अशें म्हणचो ना. परतें आपणालें सगळें काम पयस दवरून तो त्या भुरग्याची इत्सा पूर्ण करतलो.

जवाहरामदीं आनीक एक केन्नाय ना जायना असो गुण आसा. तो खंयूय आसूं; तुरुंगांत आसूं वा भायर आसूं; कितलोय कामांत आसूं, दमिल्लो-गळसपिल्लो आसूं; तो केन्नाय कोणाचो जल्मदीस विसरना. तेच भशेन हेर वर्सुकी दीस वो म्हत्वाच्यो गजाली तो विसरना. यादीन करपाच्यो ह्यो ल्हानसान गजाली; पूण ताका लागूनच तो सगळ्यांक आवडटा, हे खातीरच ते ताजेर उपाट भोग करतात. एक फावटी अशें जालें कि भारतीय पंचांगाप्रमाणें ऑक्टोबर १९,१९३ क म्हजो वाढदीस येतालो. पोलिसांनी धरतकीर जवाहराक ताजी याद आयली. त्याच दिसा ताक धरिल्लो. कांय दिसांउप्रांत ताणें पत्रांतल्यान म्हाका बरयलें :

'हालींच म्हज्या लक्षांत आयलें कि १४४ व्या कलमाखाला म्हजेर वॉरंट काडपी ह्या ब्रिटिश सरकारान १९ ऑक्टोबराक म्हाका धरून एक मोठो गुन्याव केला. कित्याक तर म्हत्वाची एक गजाल करपाची हांव त्या दिसा विसरून गेलों. त्या दिसा तुजो वाढदीस आशिल्लो. एक सुंदर कलात्मक वस्तू तुका त्या दिसा भेट म्हूण दिवपाचों आसलों. म्हज्या मोगाळ भयणीच्या वाढदिसाची म्हाका आठवण आसली. पूण मनांतलें सगळें मनांतच उल्लें. तें प्रत्यक्षांत आयलेंना. म्हज्या हातुंकीं ती एक व्हड चूक जाली. आनी आतां ती म्हाका खांवक लागल्या. मन खंती जाता. जाल्ली चूक निस्तारूंक धांवलां हांव. हें पळय, तूं आतां एक काम कर, तूं एकाद्या पुस्तकांच्या मांडार वच आनी कांय बरी अशीं पुस्तकां विचून काड. कसलीं पुस्तकां घेतलें ? कांय पुर्विल्या काळांतलीं ज्ञानभांडाराचीं पुस्तकां घे, कांय मध्ययुगांतलीं श्रद्धेचीं घे, कांय आर्विल्या काळांतलीं संशयवादावेलीं आनी भविष्यकाळांतल्या नवयुगाचींय कांय घे. अशीं सगळीं सुंदर पुस्तकां. ताचे पयशेय दी. आनी आपणाल्या भावाची, वेळान जायना कित्याक, आयिल्ली मोगाची भेट समज. तुजो भाव मात्सो विसरभोळो. पूण आपणाल्या धाकल्या भयणीची ताका सदांच याद येता. हाडिल्लीं तीं वेंचीक पुस्तकां वाच. जें वाचतलें तांतल्यान एक जादूचें शार निर्माण कर. वेगळीवेगळीं सपनां थंय आसतलीं, किल्ले आसतले, बागो आसतल्यो. खळखळ व्हांवपी वझरे थंय आसतले. सुख आनी सुंदरकाय आसतली. जीं दुखां, जे स्राप ह्या भुंयेक, दुखेस्त संवसाराक सोसचे पडटान तांकां तुज्या त्या कल्पनाशारांत येवंक दीवं नाका. जीण म्हळ्यार एक सुखदिणो असो प्रयत्न; हें जादूचें शार बांदपाखातीर अथक उद्येग आनी धिटाय; जीण म्हळ्यार सरभोंवतणची क्षुद्रता आनी बुरशेपण, सगळें दुख दळदिरेंपण ना करपाखातीर चलिल्ली म्हान साधना अशें दिसतलें.'

जवाहर इंग्लंडांतल्यान आयलो तेन्ना तो अपटुडेट, झकपक दिसनी, अती सभ्य असो एक सुंदरसो तरणाटो आसलो. गिरेस्तांचो भुरगो जसो मात्सो इबाडटा तसोच तोय आसलो. मात्सो गर्विष्ठसो. पूण फुडें अशीं वरसां आयलीं कि ताका व्हड व्हड अणभव आयले. तेचभशेन निराशा, दुखांय ताणें भोगलीं. ताका लागून तो मोव जालो आनी आज तो पयलीं केन्नाच नासलो इतलो दयेन चिप्प भिजिल्लो दिसता. अस्तंतेकडल्या शिक्षणाचो ताज्या जिणेचेर जायतो परिणाम जाल्लो आसा. आनी जिणेकडेन भारतीय नदरेंतल्यान पळोवचेपरस तो अदिक करून पाश्चिमात्य नदरेन पळयता अशें लोक समजतात. पूण हालीं झुजांतलीं उपासतापासाचीं जीं वर्सां वतात आनी संवसारांत जे नैतिक आनी राजकी अराजक मातलां, जो गुस्पागोंदळ चल्ला, तो पळोवन हिंदी आनी चिनी विचार ज्या मूळ उगमांतल्यान भायर सल्ल्यात, त्या मूळ उगमाकडेन जायते जाण वोढल्यात. जवाहरय ताका आडवाद उरूंक ना; जाल्यार तो अदिकच त्या दिकेन ओढला. जवाहराचें व्यक्तिमत्व आज पुर्विल्या विचारभुंयेंत आपलीं मुळां रोवीत आसा आनी समृद्ध अशा भूतकाळांतल्या तें रोस ओढन घेता. जायतीं सपनां भंगतरीय, मनांत बाळगिल्ले हावेस पोले जावनय आज ताच्या जिणेत जी शांति दिसता. मात लेगीत कोडुसाण ताज्या मनांत दिसना. हे सगळें भारतीय संस्कृतायेचें फळ आसा. जवाहर म्हळ्यार उदेंत आनी अस्तंतेचें म्होवाळ मीलन; जीण कशी जगची हें ताका उदेंत शिकयता जाल्यार मनशाचे भवितव्य घडवपी वृत्ती, जायत्या तरांचे विचार विकार हांचें स्वरूप विशालतायेन समजून घेवपाक अस्तंत ताका मदत करता. म्हण्णच जाज्वल्य राष्ट्रीय वृत्तीचो आसूनय आपणाल्या राष्ट्राची खरी स्वतंत्रकाय हेर देसांनी जुलूम आनी गुलामी चालू आसतना तिगून उरचेना हाजी ताका आज खात्री आसा. हिंदुस्तानांतल्या घडणुकानी ताजें मन जशें आकुळपिकूळ जाता तेचभशेन आशिया आनी युरोपांतल्यांय घडणुकांनीय जाता. स्वातंत्र्याचो खरो शिपायक तो. कोणाच्याय स्वातंत्र्याक धोको निर्माण जालो जाल्यार ताजी कड घेवन उबो रावपाक तो सदांच तयार आसता.

अशें जायते जाण आसात जांकां जवाहर मात्सो उर्मटसो दिसता. दपटून दवरपी असो दिसता. तांकां जवाहराची ही वृत्ती मानना. केन्ना केन्नाय जवाहर असो आसताय बी. पूण सबावान तो गर्विश्ठ वा दुसऱ्याचेर शेक गाजोवपा पळवपी निखालस न्हय. अशें करचेपरस तो थंयसून पयस वचत. तो महत्वाकांक्षी न्हय. हेरांक अ.पुण एक तेजवान मनीस दिसचो अशें ताका केन्नाच दिसलेंना. परतें ह्या जंवजाळांत पडचेपरस पयस रावपांतच खोशी दिसता. पयस रावनच ताका अदिक शांतताय भोगतली. पूण हें सगळें घडना. जवाहर म्हळ्यार एक सपनांत रमत रावपी जीव. अतिश्रमान दमतगीर तो जेन्ना स्वस्थ बसता, तेन्ना ताजी नदर पयस खंयतरी लागिल्ली आसता. ताजे दोळे सपनां पळयतात. अशावेळार तो ह्या संवसारांतलो न्हयच, दुसऱ्या खंयच्याय तरी

संवसारांतल्यान तो आयला अशें दिसता. केन्ना केन्ना ताजे दोळे उपाट दयेन भरिल्ले दिसतात. आनी तो त्रेपन्न वर्सां पिरायेचो आसूनय फुलांसारखें ताजें तरतरीत दिसपी तोंड खिणांत जख्खड म्हातारें दिसूंक लागता. जवाहराची जीण सुखाची न्हय. ताज्या जिणेच्या रस्त्यार सगळीं फुलांच फुल्लीं नाशिल्लीं, दुख्खाच्यो, त्रासांच्यो, त्यागाच्यो करणो ताज्या तोंडार उल्ल्यात. जाणीं जाणीं ताजेसारखो तो कांटयांचो मार्ग आपणायलो त्या सगळ्यांच्याच चेऱ्यार त्यो खुणो दिसतल्यो.

जवाहराचेर टीका करपी लोक आसात; ताजे दोश दाखोवपी लोक आसात. पूण खरी गजाल म्हळ्यार तांका जवाहर म्हळ्यार कितें तें कळूंकच ना. ताज्या चालचलणुकेंतलें मर्म तांका कळ्ळेंच ना. ताणे आपणायिल्लो मार्ग तांकां होलमलोच ना. तोय एक मनीस, तुमचे आमचे सारखोच तो. मनशांत आसपी सगळे गुणदोश, दुबळेपण ताच्यांतय आसा. सगळेजाण आपणाल्या दुबळेपणाक शरण वतात. पूण तें दुबळेपण जवाहराक आणपावंक पावना म्हूणूनच ताजें व्हडपण. आज सगळ्या हिंदुस्थानाक जवाहराचें पिशें लागलां, तें कित्याखातीर? ताजें जायते गुण, ताजें शूरपण, ताजी धिटाय, बळगें इतल्याचखातीर न्हय तर ताज्यांत आपुणय हेरांसारखो एक मनीस ही भावना वसता म्हूण. तो स्वताक हुतात्मो समजना, वीरांचो अग्रणी अशें मानीना. तो इतलेंच समजता कि देशाच्या बायट काळार ताजी सेवा करपाचें भाग्य मेळिल्लो आनी निमाणे-मेरेन तशी सेवा करीत रावपाक आंवडेवपी आपुण एक मनीस. बंदखणींत वचप म्हळ्यार व्हडलो त्याग करप अशें तो समजना. बंदखणींत वचपाचे व गेल्ल्याचें व्हडपण मिरवप ताका मानवना. ताजी अर्दी जीण जरी बंदखणींत गेल्ली तरी ताका तांतूंत व्हडलें तें कितें अशें ताका दिसता. स्वातंत्र्य मेळोवपाखातीर परकी सत्तेकडेन झुजतना हें सगळें करूंकच-भोगूंकच जाय. बंदखणींतल्यान एक फावट ताणे म्हाका बरयिल्लें :

'हालींच्या दिसांनी बंदखणींत वचप ही एक किरकोळ गजाल. आज संवसाराची बुन्यादच खिळखिळी जायत आसा. सदांच बंदखणींत वचप, हाका थोडेंशे मोल आसा, ताका लागून लाव जाता. पूण मनांतल्यान प्रेरणा नासत, तर ह्या मोलाक व्हडलेंशे म्हत्व ना. मनस्फूर्त काम करताना हेर कित्याचीच पर्वा नासता. कित्याक मनांतली प्रेरणा म्हळ्यारच एक सगळें दिवपी वस्त. गजाल.'

'आनी तरी वेल्यावयर परत परत बंदखणींत वचप दिसता तितलें सोपें न्हय. बंदखण म्हळ्यारय फुलांची सेज न्हय, जंय मनांत आपलें कि परत परत विसंव घेवपाखातीर वचचें. कांय जाणांक दिसता कीं सदांच बंदखणींत वतल्यांक संवयेर पडटा आनी तांकां ताजें व्हडलेंशें कांय दिसना. असल्या मनशांनी कांय म्हयने बंदखणींत रावचें, म्हण्टगीर तांचे हे गैरसमज, ह्यो कल्पना पयसावतल्यो. कुडीक त्रास भोगोवपी कितल्योशो गजाली बंदखणींत आसतात. बंदखणींत वता तो ह्यो गजाली भोगच्यो पडटल्यो हें

मेसर्स अनंत नरसिंह नायक असोसिएटस्

मडगांव-गोंय.

▣ तार : बाबू

▣ फोन : ऑफिस : २२१७१, २१३३५
घर : २२३१२

❋ मुडीस च्या ❋ प्रेस्टीज प्रेशर कूकर ❋

❋ क्वालिटी बिस्कीट आनी बाऊन्स दूध पावडर ❋

ह्या उत्पादनाचे गोंयचे एकमेव वितरक

ाणा जावनच वता. सगळ्यांत चड त्रासदिणी गजाल म्हळ्यार आपलेंच ते खरें करपाच्यो जिणेंत ज्यो गजाली पडत आसतात; तांचेकडेन जुळवन घेवप मनाक कठीण जाता.'

आपणाल्या मायेमोगाच्या मनशांपसून पयस वचप अधिकाऱ्यांच्या मनाप्रमाण भेटगांठ जावप. ह्या सगळ्या गजालींचो रागराग येता. जीव उबगता. दुख्ख भोगता. बंदखणींत जायते दीस काडप आनी परतें जिणेंत कोडूपणा येवंक ना दिवप ही कठीणच गजाल. पूण जवाहराक ती पुरायेन सादल्या.

जवाहरान बरयिल्लेप्रमाणें, एकाद्री गजाल करपाची आपणाक मनांतल्यान प्रेरणा जाल्ली आसत तरच ध्येयामेरेन पावपाखातीर भोगपी हाल अपेष्टा सोसूंक शक्य जाता. जवाहराक परतपरत धरचें आनी आमी दुख्खी जावचें आनी ताणे आमकां धैर्य आनी शक्ती दिवंची. तो म्हणटालो, ' हांव कोण ? म्हज्याखातीर दुख्खी कश्टी जावं नाकात. आतां परतों भायर येतलों.' कितलींय संकश्टां ताजेर आयलीं, कितलेंय दुख्ख ताजेर कोसळ्लें तरी तो हांसून व्हरी. तांकां चडशें म्हत्व दिना आशिल्लो. परतें आमकां सगळ्या गजालींक धिटायेन फुडो करूंक शिकयी.

१९४० वर्सा ताका चार वर्सांची बंदखण भोगयली, त्या ख्यास्तींच्या सूडबुद्धीन सगळो देश खळबळ्लो जाणीं जाणीं म्हण ती गजाल वाचली तो अजापलो, चुकचुकलो. आमकांय तो धक्को व्हड आसलो. व्हड संकश्ट आसलें. सरकाराच्या संवसाराभायल्या विचित्रपणाची आमकां काचना आसली, विचित्र आनी येवजिनाशिल्ल्या हुकुमांची आमकां संवय आसली, तरी पयलीं केन्नाच जालें ना इतलें ती चार वर्सांची ख्यास्त आयकून आमकां दुख्ख जाल्लें. म्हाका तर कांयच येवजना. जवाहराक हांवें तशें बरयलेंय. आनी राजा आनी हांव ताका मेळूंक येवं काय म्हूण विचाल्लें. तो देहरादूनच्या बंदखणींत आसलो. म्हज्या चिटीक जाप म्हूण ताणें बरयलें :

' राजा आनी तूं येतलीं तेन्ना तुमकां हांव येवकारच दितलों. म्हाका खूब खोशी भोगतली. चड करून राजाक मेळपाची म्हाका खूब आस आसा; मागीर परती रोकडी आमची भेट जावपाची ना. (राजा स्वता सत्याग्रह करपाचो आसलो) म्हजी ख्यास्त आयकून राजा अस्वस्थ जालो. ताका दुख्ख भोगलें हें जाणा जावन म्हाका खूब वायट दिसलें. आनी तूंय पिशा, अस्वस्थ जालें ? पूण हालीं म्हाका जशी शांतताय मेळटा तशी पयलीं केन्नाच मेळ्ली नाशिल्ली, आमच्या ह्या पिशा संवसारांत ही एक म्हत्वाचीच गजाल न्हय ? अशी शांतताय मेळवप म्हळ्यार अजाप न्हय ? म्हजे भायले जे उद्येग सद्याक थामल्यात, त्या उद्येगांकडेन संबंध आशिल्ले म्हज्या मनाचे कोणशे हावें सद्याक धांपून उडयल्यात. संवयेन हांव हें अशें करपाक, स्वताक वेगळावपाक शिकलां. कांसवाभेन आपणाल्या भायल्या वृत्तींक भितर ओडपाची कला म्हाका थोडीथोडी प्राप्त जाल्या. म्हज्याखातीर तुमी बेठींच दुख्खी जांव नाकात. म्हजो हुस्को करूं नाकात. आमची सगळ्यांवीच जीण फुडेंफुडें चडचड कठीण कश्टांची जायत वतली. फाटले सुखाचे दीस हे गेल्ल्या यगांतले जाले. ते केन्ना परत येतीत ? ते केन्नाय परत येत कांय ना हें कोणाकच खबर ना. जी जीण आज सामकार आसा, तिजेकडेन जुळवन घेवंक जाय; जें ना ताजेखातीर उस्वास सोडूंक उपकारना, कुडीचे कश्ट, मनांतल्यो वेदना हांच्यामुखार कांयच न्हय. आनी जीण मोव आसूं वा कठीण सुखाची आसूं वा दुख्खाची, तांतल्यानय आमी कितेंय मेळोवन घेवंक पावूं, कितेंय बरें काडून घेवंक पावूंत; पूण निमाणे जाका जिणेचो उपभोग घेवपाचो आसा, ताणें ताजें मोल कितलें हाजो विचार करप सोडून दिवपाक जाय. विचार काय ना अशें थरवनच चलूंक जाय.'

एक फावट कलकत्त्याच्या अलिपुर बंदखणींत जवाहर आसलो. ताका धरीतसावन ताजेविशीं कांयच कळ्लें नासलें. म्हूण ताजेविशीं हुस्को दिसतालो. त्यावेळार अशेंच एक पत्र ताणें म्हाका बरयिल्लें. विशिश्ट अशा जवाहरी थाटाचें तें पत्र अशें आसलें :

' मोगाळ कृष्णा, तूं नि हेर सगळीं म्हज्याविशी हुस्को करीत बसचीं नात अशी आशा आसा, हांव बरो आसां, मनय शांत आसा, विसव मेळटा. हांव आतां खूब वाचीन. कित्याक तर हांगा करपासारखें खऱ्यांनीच आनीक कांय ना. फकत वाचपाचें नि चिंतपाचें. सदांच्यो गजाली करपाच्यो आनी म्हण हांव जेन्ना भायर येतलों तो दीस अजून पयसच खूब आसा. तेन्ना आयच्यापरस अदिक शाणो जावन येन. एकादेक, एकदेक नाय बी, शाणपण म्हणटात ती हातांतल्यान सुटून वचपी गजाल. ती धरून दवरप कठीण. आनी तरीकय तें शाणपण एकाद्रे वेळेक अकस्मात येता. येता तें समजना लेगीत. तें येवूं, ना येवूं हांव ह्या काळांत ताजो निष्ठावान सेवक जातलों, ताजी कृपा मेळोवपाची खटपट करीन. एक दीस तें शाणपण म्हजेर प्रसन्न जातलें. आनी शाणपणाची प्रेमाराधना करूंक फावोसारखो जागो म्हळ्यार बंदखण अशें दिसना तुका ? हांगाच्या ह्या सगळ्या शाणपणाक आपणावपाचो यत्न करपाक बरें दिसता. जिणेंतलो तो धांवधपाटो, विचार करीनास्तना निर्णय घेवप हें हांगा नासता. मन कित्यांतय गुंतनासतना हांगा एकाग्र जांव येता. आनी सगळ्यांच्या जिणेकडेन मातशें पयसुल्यान, आसक्ति धरिनास्तना पळंव येता.

मैदानांतल्या जिणेचो जवाहर खूबच भोक्तो. शिया दिसांतल्या खेळांचो तर ताका खूबच शोक. आमी स्वीत्झर्लंडांत आसले, तेन्ना वरांवरां बर्फावेल्यान निसरपाचो, चलपाचो खेळ खेळटालो. निसर्गाचें ताजें, भस्ट न केल्लें सौंदर्य ताका खूब आवडलें. तो निसर्गभोगी आसा, खऱ्यांनी तो निसर्गाचेंच भुरगें आसा.

जण एकल्यान आपलें काम वेवस्थीत, बरे भशेन करचें अशी जवाहर अपेक्षा करता. खेळ आसूं वा काम आसूं, सगळें वेवस्थीत जावंक जाय. काम नीट वेवस्थीत करून घेवपी मालक तो. १९३१ वर्सा ताज्या सेक्रेटरीचें काम हांवें वर्सभर केलें. म्हाका तें काम खूब भावलें. पूण हातसून कितेंय चूक जायत, जवाहर रागार जायत अशी सारखी भिरांत दिसताली. म्हज्या बऱ्या नशिबान तसलें

कितेंय त्या वेळार घडलें ना. काम करपाच्या म्हज्या ताकतीन तशें जालें. कांय नशिबान साथ दिली म्हूण कांय एक चूक घडलीना हाजो निर्णय हांव अजून मेरेन करूंक पावलें ना. सुशेगादपण, आळशीपण, कामांत चुकारपण करप, काम वेवस्थीन न करप. ह्यो गजाली म्हळ्यार जवाहराच्या नदरेंतल्यान व्हडलीं पापां, क्षमा करूंक येनात असले गुन्हे. एक दीस स्विट्झर्लंडांत आसतना जो म्हाका स्कायिंग शिकयतालो. पयलो घडो तो दिवपाचो आसलो, तो दीस तितलोसो बरो नासलो. त्या दोन दिसांनी वर्फ पडलें नासलें. आनी पयलीं पडिल्लें घट्ट जावन ताजे सुळसुळीत फातर जाल्ले. हांव परत परत उवें रावतालें पूण परतें धप करून सकल पड, म्हाका तोल सांबाळूंकच येना. म्हाकाय वायट दिसतालें. जवाहराक तर तिडक आयिल्ली. थोडचो चांटयो तरी मारपाच्योच.कितेंय जांव अशें थारावन हांव प्रयत्न करी. पूण दर फावटी हांव निसरून पड. आनी पडटालें तेंय कशें तर एकाद्रचा अजागळासारखें, मेळटा तशें. जवाहराच्या सबावाचें मात्शे दर्शनय म्हाका त्या वेळार जालें. आपल्या मनोवृत्तीचें थोडेशें दर्शन ताणें म्हाका दिलें. ताणें म्हळें, भविष्यवाणीच उच्चारली ताणें, 'धा लाख वर्सांतय शिकचें ना तूं' म्हाका खूब लज जाली. म्हजोय स्वाभिमान दुखलो. एका स्वीस मैत्रिणीक शिकंवक सांगलें. आनी तीन दिसांभितर, म्हज्या भावान भविष्य केल्लें तरी, हांव एकले, कोणाची मदत घे नास्तना त्या बर्फावेल्यान चलूंक लागलें, स्कायिंग करूंक लागलें.

सेवा जवाहरानच करची. मनशाचो कस लागपी अशा कठीण परिस्थितींतय तो शांत आसता. ताजी मोवसाण, ताजी सहानभूति हांकां अंत ना पार. दुसऱ्याक समजून घेवपाची ताजी वृत्ती आनीक खंयच अणभवंक मेळपाची ना. ताजो धीर, सहन करपाची शक्त हांकां तुळाच ना. परिस्थितीकडेन जुळवन घेवपाची शक्त हो ताजो सगळ्यांत मोठो गुण. भोंवतणच्या ल्हानसान गजालींतय ताका सुंदरकाय दिसता. सुख मेळटा. हो ताजो गुण म्हळ्यार एक व्हड सिद्धी. देहरादूनच्या बंदखणींत आसतना एक फावट ताणें म्हाका बरयिल्लें :

तिसऱ्या पाराच्या खर सुर्यान खूबशे बर्फ वितळायलां. पूण दोंगराच्या तेंगशांवेलें तशेंच आसा. कुपां ल्हवू ल्हवू पयस गेल्यांत. ताणीं साटलीपोटली कवळ्ळ्या. ताका लागून निळें निळें मळब दिसूंक लागलां. उत्तर हिंदुस्तानांतल्या पावसाउपरांत पयलेच खेपेक अशें मळब दिसलां. तें निळें मळब! खऱ्यांनीच कितलें अजापाचें, पिशें लावपी! त्या निळ्या मळबाचें आमकां दर्शन मेळचे म्हण्णच तीं कुपां गेलीं ना मूं? तुमच्या मुंबयंत अशें मळब दिसता? पावसा उपरान्तचें निळें निळें मळब? तुमच्या थंय आसतलेंय, पूण पळयतलो कोण? आनी आयची सांजवेळ, सदांपरस ती सुंदर आसली, इतली सोबीत केन्नाय बी दिसता. ढगांचो खेळ सुरू जाता. कुपांक खेळचेंशें दिसता. सुर्याचीं– हांसपी सुर्याचीं किर्णां धरून हीं कुपां तांकां हेवटेन शेंवटितालीं. हेवटेन तेवटेन किर्णांच किर्णां! पयलीं दिसूंक नात अशे रंग येताले, वताले. वेगळ्यो वेगळ्यो आकृत्यो दिसतालो! विचित्र, अप्रुपांच्यो आकृती! आनी खिणभरयांत बदलतालो, ना जातालो. आनी ह्या सगळ्यांचेर तो रंगांची मस्तिकाय! पर्वतांच्यो त्यो उगडचो वागडचो तेंगशो तांबडचो तांबडचो दिसतालो, पेटते गुळे कशे! खैबर प्रदेशांतल्या दोंगरांची ताणीं म्हाका याद हाडली. मदीं मदीं बर्फान भरिल्ले भाग चकचकताले, पूण परते निष्प्रभ जाताले. आनी मागीर रोकडोच तो चंद्र आयलो! जवळ जवळ पुराय चंद्र! ह्या सगळ्या देखाव्यांत ताणें आनीक भर घाली.'

जवाहराच्या तोंडार सदांच हांसो आसलो, भायल्यान तो सुखी, आनंदीत दिसलो, तरी दुखाचे, काळीज फुटपाचे घोंट तो खूब पियेला. ताज्या वांटचाक येवपाचे परस अदिक दुख्ख ताणें भोगलां; काळीज फुटून वता अशें. ज्या वेळार घरकान्नीच्या प्रेमाची आनी सहकार्याची चडच गरज आसता, त्याच वेळार ताजी तर्णाटी घरकान्न भायर पडली. जवाहराच्या जिणेंतली ती अति करूण आनी दुखदिणी गजाल. त्या गजालीचीं दुख कितली खोलायेन जाल्या तें ताणें केन्नाच दाखोवन दिलें ना. खिणभर जवाहर दुख्खान भरता, खिणभर ताजो थाबच सुट्टा. पूण दुसऱ्याच खिणाक तो आपणाक सांभाळटा, ताजो चेरो शांत, नीतळ जाता.

तर्नाटिपणांतच जवाहर राजकारणाकडेन थोडो थोडो वचूंक लागलो. पूण हेंच आपल्या जिणेचें मुखेल काम जावन बसतलें हाजी कल्पना त्यावेळार ताका आपली नासत. नाना तरांच्या घडणुकांनी, घडत वतल्या गजालींनी ल्हवुल्हवू ताका ओढलो. आंदोलनाचीं व्हडलीं व्हडलीं ल्हारां आयलीं आनी ताणी ताका आपल्याबराबर व्हेलें. भरतेबराबर तोय व्हांवन गेलो. पूण ताका परतें ताजी जीण जगूंक दिली. तरी परतून तो तशेंच करतलो. पयलीं वागिल्लो तसोच वागतलो. अनेक लोक ताजेर अनेक आरोप करतात. कोण म्हण्टा तो नादी, छांदिष्ट कोण म्हणटात तो सपनांत जियेवपी. कोण म्हण्टात सामकार आयिल्लें आतांचे काम नीट करीनास्तना, ह्या वेळेचा, ह्या खिणाचो प्रस्न कसो सोडवपाचो हें पळयनासतना, ओगीच व्हडल्यो व्हडल्यो गजाली उलयत बसता. हे आरोप खरे आसत, नासत. पूण एक गजाल मात न्हयकारूंक जावचीना. आनी ती म्हळ्यार जवाहर खऱ्यांनीच व्हड व्हड सपनांनी रमपी. बरीं बरीं सपनां मनांत केळोवपी. भविश्य काळांतलीं व्हडल्या व्हडल्या गजालीचीं सपनां तो पळयता. तातूंत रमता. हीं सपनां ताका जरी सत्य सृष्टींत पळोवंक मेळ्लीं ना, तरी दुसरे कोणीय तीं पळयतले. पूण ताजीं सपना हीं ताज्या स्वताविशींचीं. नासतात. भारताच्या फुडारा भोंवतणी तीं गुथिल्लीं आसतात, विणिल्लीं आसतात. भारत, जाच्या व्हड फुडाराविशीं जवाहराक इल्लोलेगीत दुबाव दिसना. भारताच्या फुडारांतल्या व्हडपणाविशीं ताका पुरायेन खात्री आसा आनी जाची सेवा करपाखातीर तो आनंदान जीवय ओंपतलो– अशा भारताच्या भोंवतणी ताजीं सपनां नाचत आसतात.

–✻–

श्रद्धांजली

– रामनाथ गजानन गावडे

सच्चेभशेन हांव सायकल घेवन पासयेक वतालो. पंचायतीचे इमारतीकडेन पांवलो इतल्यान इमारतीच्या फाटल्यान कमलो तरी बोवाळ आयकूंक येवपाक लागलो. आनी हांव पळोवंक म्हुण फाटल्यान गेलो, जाल्यार कांय लोक एका चोराक धमकायताले. ताका तांणी मारलो बी कांय ते कळ्ळे ना. पूण तांच्या उलोवण्या-वेल्यान म्हाका कळून आयले की तो चोर फाटलेवटेतल्यान पंचायतीच्या इमारतीत कशे भीतर वचूंक मेळटले आनी आ ल्याक कशें चोरूंक मेळटले हाजेविशी येवजितालो. तो इमारत वेल्यान सखल बारकायेन निरखितालो. अशी ही तांची उतरा आयकून म्हाकाय ताचो राग आयलो. सायकल थंयच आशिल्ल्या ट्रॅक्टराक बडकून दवरली आनी ताज्या शर्टाक धरून चार फुलयतलो म्हुण गेलो.

दोघतीघजणांक फाटी धुकल्ले आनी सरळ वचून ताज्या शर्टाक दाव्या हातीन धरून कानसुलार एक वाजयतलो म्हुण उजवो हात उखल्लो. ताज्या दोळ्यांतली ती दुकां आनी ताजो बाबडो चेरो पळोवन म्हाकांय एका चोराभशेन जांवन ताज्या सारख्याच संकटान पडिल्याभशेन जाले आनी म्हजो उभारलेलो हात पगळलो. म्हाका खीणभर घुवळ येता कशी दीसली. दोळ्यांफुडें काजूल्ले येवपाक लागले. जेन्ना तो म्हाका भरलेल्या दोळ्यांनी पळयत रावलो, तेन्ना हांवेन ताका विचारले 'तू ऽ . तू लक्षीमण न्ही.' ताणे तकली हालोवन आपूण लक्षीमण आसा हे सांगले. आता म्हज्याय दोळ्यांतलीं दुकां आपणूकूच भायर आयिल्लो. आनी म्हज्यान रावो नजो जांवन हांवेन ताका घट्ट वेंग मारली. ताणेंय म्हज्या भोंवतीं हातीचो विळखो घातलो.

थोडयानी, 'हो मरे तो, कांतीचो खूनी आयलो दिस्ता आता आग्वादची हवा खांवन.' 'आरे, पूण हो बरोच बेगीन आयलो मरे.' 'खंयचोय चोर, खूनी साव जावपाक पळयता ते बेठेच न्ही. जणू आपूण कांयच करूंक ना अशें करता मरे तो.' 'नारे, भोंगू बाबड्याचे. चूक नासतनाय बंदखण भोगली.' अशे तरेची उतरा काडपाक लोकांक सुवाद मेळील्ली. कांय लोक मात अजापून पळयताले. आनी हो सोपूल्यालो लक्षीमण म्हूण ताणी ताका वळखूपाक कळाव केलो ना.

हांवेन ताका सायकलीर बसोवन मैलभर पैस आशिल्ल्या घराकडेन पावयलो. वतना तो म्हाका खूप कितें–कितें विचारतालो. हांवेन ताका कितें जापो दिल्यो त्यो मात म्हाकाच कळनाशिल्ल्यो. आनी हांवेन ताका कितें विचारले ते कितें म्हुण ताकाय पटनाशिल्ले. कित्याक तर दोघांयच्याय तकलेन विचारांची व्हडली वादळां सुरू जाल्ली. केन्नाच ताज्या घराकडेन पावले. तो जड मनान आंडखळत, आडखळत आंगणातले तुळशीक पांय पडपाक म्हणून फुडे सरतालो. इतल्यान ताजे म्हतारे आवयन ताका 'बाबा पयली न्हावन घे आनी मागीर पुजा कर देवाची.' ही ताजे आवयची मोगाळ उतरां आयकून ताजे घुसपटून उरील्ले रडप एकदम् फुटले, आनी तो सरळ आपल्या आवयच्या पांयार पडलो.

म्हज्यान तें पळो नजो जांवन हांवेन सायकल परतीली आनी रस्त्याक लागलो. पूण म्हजे तकलेतले वादळ, ते पिसवल्या वाऱ्या-भशेन विचार आनी आड्डूपी काळजाच्या धडधडचान म्हजी विचा-रांची यंत्रणा नेटान चलोवपाक सुरुवात केली, आनी चीतनांचो घसघश्यांचो पावस म्हज्या माथ्यावेल्यान पड्टा कसो जालो.

स–सात वर्सां पयलीची गजाल. बेलवाड्यावेल्या रस्त्याचे काम नेटान चालू आशिल्ले. त्या दिसा व्हाळार आरूक बांदपाचे काम चालू आशिल्ले. कायलींचो, खोऱ्यांचो आनी मीक्षराचो आवाज हिसपाभायर आशिल्लो. ताज्याभितर काम करतल्यांचो

ोडो–भौ आवाज हांव, हांव म्हण्टालो. आरकाच्या सकलेवटेन ोटरार आयिल्ली शेतां, शेतांचेकडेन माड जाल्यार वेल्यावटेन ाजूंची, पणसांची आनी हेर मोठी–मोठी झाडा दोंगूल्यानी दिष्टी ड्टाली. लागसराकूच कामाक आयिल्ले म्हादेवाचे देवूळ आशिल्ले, ानी सू, सू करीत सादारण थंडसो वारो घामेल्ल्या आंगाक ंडसाण दितालो. आनी सगळे वातावरण एकदम् प्रसन्न आशिल्ले. गळे कामती लोक आयज पगार पडटलो म्हुण चडूच उमेदीर ाशिल्ले. मुकादमूय आपल्याक आयज भायल्या भायर थोडे कितें ुट्टले म्हुण खूष आशिल्लो. आनी इतल्यान त्याच बोवाळांत कोणे री किळांच मारली.

कांती चीरो माथ्यार घेतना ताज्या पांयार पडिल्लो. हें ापल्या कामात गुंग आशिल्ल्या लक्षीमणान रोखडेंच पळयले. कित्याक तर ताजे मदी, मदी लक्ष कांतीचेरूय आशिल्ले. तो रोखडोच थंय धावून आयलो. बाकीचेंय थंय जमा जाले. कांतीच्या ायार पडिल्ल्या चीऱ्यान ताज्या उजव्या पांयाच्या आंगठ्याक बरोच ार लागिल्लो. रगत व्हांवताले.

मुकादमूय थंय आयलो आनी ताणे तो आंगठो बांदपाक लक्षीमणाक फर्मायले. लक्षीमणाकूय तेंच जाय आशिल्ले. कांती थंयच एक कायल परती वडोवन ताजेर बशिल्ले, आनी पांय परतो घालून ताणे ताका चिड्डून धरिल्लो. बाकींची कामेरी ताका धीर दिताली. पूण ताजे दुखणे आनी वळवळ कशी कमी जातली ? लक्षीमणान वेळ काडी नास्तना आपल्या माथ्याक बांदिल्लो तांबडो लेस जो ताणे फाटल्याच पगाराक घेतील्लो. तो काडून फर्र करून पीनलो आनी भीयेत, भीयेत ताज्या पायांक हात घातलो. कांतीच्या पांयापेक्षा ताजे हात चड कडकड्टाले. तो जतनायेन ताजो पांय निवळ करून बांदतालो.

बाकीचे उलयताले–'हांव हेंका सदांच सांगता सावकाश कामा करात म्हणून, पूण म्हजे कोण आयकतात...' जांटेलोसो एकलो उलयलो.

'नवेंत न्हरे तें, कामाची खंय ताका चड संत्रय आसा. आमकांय पयली, पयली अश्योच दुकापती जातात्यो' दुसरो एकलो उलयलो.

'म्हाका आजून एकूय दुखापत जांवना मरे. तुका खंय जाल्ली ती पळोवया ?' आनी एकलो फकाणा करपाखातीर उलयलो, आनी हेरां परस तोंच चड हांसलो.

लक्षीमण कांतीचो आंगठो बांदतालो खरो. पूण ताजे तकलेन कसलें तरेचे विच्यार घोळटाले हें कळं सारखे नाशिल्ले. ताज्या दोळ्यांतल्यान दोन दुकां बांदिल्ल्या घावाचेर पडली. ती कांतीच्या भरील्या दोळ्यानी सारखी पळयली. कांतीन ताज्या दोळ्यांतल्यान खरो प्रकार वळखलो आनी ताजे तकलेंतले थोडे–भौ दुबाव पैसावले. तरी पूण चड वेळ ताका पळोंवक ताका जमले ना.

मुकादमान बांकीचे हासता, फकाणा–चीकाणा करता ती पळोवन म्हळे, 'चला, चला उठा, लागा कामाक. कामापेक्षा फकाणा चड.'

आनी बाकीच्या बरोबर लक्षीमणूय कामांक लागलो पूण तो चितताला की कांती आपल्याचेर मोग करीत काय ? आपली बायल जावपाक राजी जायत काय ? तें फकत आपल्याच वांगडा उलोवचे, आपल्याकूच हांसचे अशें ताका दिस्ताले. आनी तो देवाकडेनूय अशेंच कितें तरी मागतालो.

मुकादमान कांतीक आम्याच्या सावळेंक बसपाक लायिल्ले. तें थंय अशेंच कितें तरी चितताले. बशिल्ले कडेन ते तिरश्या दोळ्यानी लक्षीमणाक परत, परत पळोवपाचो यत्न करताले. आनी लक्षीमण म्हुण दुसरे कितें करतलो तोय ताका भीतरले मानेन मदी, मदी चोरून पळयतालो. आनी दोगांयची धडधडती काळजां एकामेकाच्या काळजाक आपूडपाक आवणेताली.

लक्षीमण हो खरे म्हळ्यार ल्हानपणी खुप मस्तो भुरगो आशिल्लो. कोणाल्यो काजू, पणस, आडसरां चोरप झगडी करप हें ताजे सच्चेच जाल्ले. घरांन तो आवयक, बापायक आयकना म्हणून ताणी ताका शिकपाक म्हणून मामागेर दवरलो. तरी ताजो मस्तेपणाचो सोभाव तितलोसो बदल्लो ना. मामानूय ताका बेजारोन चड, चड शिकपाक फोर्स केलो ना. पांचवेक–सवेक आसतनाच तो मानाय जाल्लो. कित्याक तर पास जावप म्हळ्यार ताजे नशिब समजताले. एक दीस ताणे व्हडलो पराक्रम केलो. ताकाच चड भारी 'त्या' सराचेंर ताणे एकदीस दडोन रावन फातर शेवटीले. आनी शुट काडली. आनी त्या दिसासांवन ताका इश्कोलान वचपाक धाडस जाले ना. आनी थोड्याच दिसांभीतर तो आपल्या घरा आयलो.

घरा तरी येवन दुसरे कितें करतलो ? तागेलो मुळ सोभाव बदल्लो ना. त्या दिसानी वाड्यावेल्या रस्त्याच्या कामाक लोक जाय आशिल्ले. आवयक तर ताजो खूपूच वीट आयिल्लो. दिसवड्याक तरी वचूंनी म्हुण तिणे ताका फोरसायलो. कशे म्हुण कोण जाणा ? तो कामाक भायर सरलो. तो हरशी काम नकळो अशे न्ही, तसो तो सगळीं कामां करूंक जाणा आशिल्लो. तरी पूण ताका मात्शे त्रास जालेंच, आनी बेजारोन ताणे थोड्याच दिसांनी काम सोडपाचे थारायले. पूण दूसरेच दिसा एक नवे चली कामाक आयलें. तशें पळोंवक गेल्यार ते तितलेशें गोरे नाशिल्ले तरी पूण बरे दिस्ताले. बारीकूच नाक, लांम केसाची वीणी आनी मोजकीच तांबडी फुलां माथ्याक माळील्ली. तें चली ताज्या मनान भल्ले. ताका तेंच आपली बायल जांवक फावं अशे दिस्ताले. आनी ताणे काम सोडपाचो विचार बदललो. आनी ताजो आता इल्लो सोभावूय बदलूक लागल्लो. आपूण ताका आवडचो म्हुण ताणे आता करता, करता मस्तेपणा उणी केलीं. पूण लोक मात म्हण्टाले, 'काम जशे आंगार पडले तसो मद आपूणूच जिरता.'

आता तो इल्लो, इल्लो ताजेर बारीक साणीन नदर दवरपाक लागलो. ताज्यो आवडी–निवडी आता ताका कळूंक लागिल्ल्यो. ताज्या भोळ्यापणाच्या सोभावामुकार आपले मन उक्ते करचें अशें ताका दिस्ताले. पूण ताज्यान तें धाडस करूंक जमले ना.

एक दिस अशेंच गजाली करता, करता कोणेतरी म्हळे की येता त्या शेनवाराक कामण्यावाड्यार नाटक आमा. हें आयकतकूर तो एकदम पापड कसो फुल्लो. ताका आता नवे विचार सुचवाक लागिल्ले. कित्याक तर तागेलें 'ते' कांती त्याच वाड्यावेले आनले. केन्ना येकदाचो शेनवार येतलो आनी आपले काम करतलो अशे ताका जाल्ले.

एकदाचो नाटकाचो दिस येवन नाटक सुरू जाले. तशें पळोवंक गेल्यार लोक खूपूच कमी आशिल्ले. पूण गर्दी मात नाशिल्ली. लोक नाटकापेक्षा नटयेंच्योच चड गजाली करतालें. आनी आमचो हो लक्षीमण हातीन दोन आबोल्यांच्यो फातयो घेवन कांतीच्या सोदान आशिल्लो. कांतीक तांबडी फुला आवड्टा म्हुण ताणे ताका त्यो फातयो दिवपाक घेतिल्ल्यो. ताजे फकत इतलेच विचार आशिल्ले की ही फुलां दिवन ताका खूष करचें. ताका आपलेंशे करचे. नाटक सोपोन लोक घरा परतले तरी ताका कांती गावलेंच ना. कशे गावतले? नाटकाक येयल्यार मू? तें नाटकाक येवकूच ना जाल्यार कशें गावतले. तें कित्याक येवंक ना, हे मात कळूना. ताका नाटकां आवडना अशे न्ही. सबंद रात जागरणा मारून नाटक पळोवपी तें मनीस.

आनी लक्षीमणाची पयली येवजण बाद जाली. ताका ताज्या बरोबर आपलोय राग आयलो आयज पासून कांतीचें तकलेंतले पिशे पैस करचे अशें ताणे चिंतले. आनी घेतिल्ल्यो फातयो आता रागान आपूण माळच्यो कशे दिसले. पूण किते चीतून ताणे त्यो आवयक व्हरून दिल्यो म्हुण कोण जाणा. घडयेक आवयक खूष दवरपाक, जांव आपूण आता मस्तो उरूंक ना, बरो शाणो जालां. तेन्ना म्हजे लगीन करचे. अशे बी विचार ताणे केले जायत, पूण सोभावाचे दृष्टीन तो बरोच सुदारिल्लो.

सोमारदीस जेन्ना तो कामार रुजू जालो तेन्ना तो उमेदीर नाशिल्लो. शिवाय कांतीय ताका दिष्टी पडले ना. तो चड चवकशी करपाचे भानगडोत पडलो ना. काम तर ताका आंगार पडिल्ल्या भशेन दिसताले.

जेन्ना पांचव्या दिसा कांती कामार रुजू जाले तेन्ना ताका बाकीच्यांच्या उलोवण्यावेल्यान अशे कळून आयले, की शेनवारदीसूच तिनसांची तागेली बरी नाशिल्ली आजी भायर पडली म्हुण. लक्षीमणाक हें कळपाक कळाव लागलो ना, की त्याचखातीर ते नाटकाक येवंक शकले ना. आनी ताका आपूण खंय तरी चुकला हाजी जाण जालीं. ह्यो फातयो आता दोळ्यामुकार येंवन ताका खावपाक सोदता अशे दिसले. तरीय पूण सगळे विसरायेर घालून कामाक लागपाचे थारायलें.

केन्ना दिस वतालें हे ताका कळच नाशिल्ले. म्हयन्यार म्हयने गेले. कांतीकडेनूय ताजी बरीच वळख जाल्ली. दोगांय एकमेकाक मुमुरक्यानी हासताली पूण दोगांय आपली खरी काळजां उकती करूक शकली ना. 'खरो मोग वोळखून सुद्धा तो उक्तो करप ही एक म्हान गजाल' म्हण्टा तेंच खरे. दोगांयचेय तेंच जाल्ले दोळे उलयताले पूण मोगाचे बाबतीन तोणांक कुलूप आशिल्लें. हेंच परिस्थितीन केन्ना रस्त्याचे काम सोपले तांका कळ्ळेच ना. केन्ना आरूंक बांदून जालो. कांतीचो फुटिल्लो आंगठोय आता फेकिल्लो. आनी एक दिस रस्त्याच्या कामाचो निमणोय दिस येवन गेलो.

एक दिस तो खळचाचे मेरेर बसून आता कशें ह्या विशयाचेर विचार करतालो. आपूण सरळ ताज्या घराकडेन वचून ताका मागणे घालचे. ताका पळोवन व्हरचें अशेच तो चित्तालो. पूण आपल्या घराकडेन येतल्या मुकादमाक पळोवन ताची चीतनाची साखळी तुटली. तो एकदम उभो रावलों. मुकादमाक आपल्या प्रफुल्लीत हासण्यान योवकार दिलो. बयल्यावयर गजाली जांवन मुकादमान आयिल्ल्याचे कारण सांगले की पात्रावान पंचायतीची इमारत बांदपाचे काम घेतलां, तेन्ना फाल्यांच कामार हाजीर रावपाक जाय. ताकाय तेंच जाय आशिल्ले. हरशी म्हुण काम तर कोणाक नाका जाता? आनी तें तर अशें तरेंचे.

नव्या कामाक नवी जागा, नवी गती, नवी उमेद आनी सगळेंच नवे आशिल्ले. करता, करता इमारत उभी रावपाक लागली. इमारत बारीकूच पूण दोन माळचांची आशिल्ली. लोकूय तसो कामाक खूपूच आशिल्लो. लक्षीमणाकय आता कांतीकडेन उलोवपाची संवय जाल्ली. उलयल्याबगर ताका रावो नजो जाताले आनी कांती तर ताजेकडेन मुद्दमुच उलयताले. इतलें आसूनय ती दोगांय सत्भावर्थान वागताली. हरशी दोगांयच्याय आंगात मोगान धुमशेण घातलां पूण ते भीतरल्याभीतरूच उरताले. दोगांय एकामेकाच्या 'त्या' उलोवण्याची वाट पळयतालीं. सगळे हांसोन खेळोन व्हरताली. लक्षीमण रातचो एक आराखडो आखतालो की फाल्या आपूण कांतीकडेन आपले मन उकतें करतलोंच पूण सकाळीफुडे ताका धीर जायनासलो. अशे तरेन सगळ्यो राती आनी दिस वताले. आनी कांती अशेंच कितें तरी चीतून येताले आनी दिस सोपलो की आपलें आपूणूच सोताक वायट–वायट म्हणून घेतालें.

इमारतीचो पयलो मजलो बांदपाचे काम केन्ना सोपत आयले, आनी दिस केन्ना गेले, हे दोगांयकूय कळपाक वगत लागलो.

काम तर नेटान चालूच आशिल्ले. कामाक दोग–तिगजाण गवणे आशिल्ले. ताणी लक्षीमणाक वीट कशे जीखप, कशे वडोवप, कशे पटापट दवरप हे शिकयलो. विटांचे राशीकडल्यान काम करतल्या गवण्याकडेन वीट कशे शेवटूवप हातून तर तो एकदम प्रविण जाल्लो.

त्या दिसा कितें जाले म्हुण कोण जाणा. लक्षीमणाक खूपूच आळस आयिल्याभशेन जाताले. घडयेंक ताज्या जीवाक बरे नाशिल्लें जांवये. जेन्ना तो सकाळी कामार आयलो तेन्ना ताका एक खबर आयकून मोठो धक्को बशिल्ल्यावरी जाले. ती खबर अशी–' कांतीची एका ड्रायव्हराकडेन ताज्या घरातल्यानी सवरागत केल्ली, आनी म्हयना उपरान लगोनूय थरलां.' खींणभर ताज्या दोळ्यांमुकार काळोख आयलो. पूण दुसऱ्याक दाखोवन दिवप ताका जमले ना.

दिसभर ताज्या दोळ्यांमुकार कांतीचे लगीन आनी कानांच्या पडचार कांतीच्या लगनाच्यो गजाली आपट्टाल्यो. ताका पीसवल्या-वरी जातालें.

दिस सोपत आयिल्लो. कांय वेळांतच काम सुटपाचे आशिल्ले. लक्षीमण वैर रावन गवण्याकडेन विटो शेंवटितालो. दोगांयच्याभीतर बरेंच अंतर आशिल्ले. जर वीट मात्सो आयल्यान पडलो जाल्यार तो सखल पडपाची शक्यता आसली. आनी तें एक-एक वीट वडय-नासले तर दो-दोन वीट वडयताले. आनी इतल्यान जावपाचें न्हीं तेंच जाले.

वीट सखल काम करतल्या कांतीच्या माथ्यार पडले. एकूच आकांत. कांतीक बरोच मार लागून ताजे तकलेंतल्यान रक्तां व्हांवताली. मेळत ताणें धावपळ करून ताका गाडी करून रोखडेंच दोतोरागेर व्हरपाची व्यवस्था केली.

तशें पळोवंक गेल्यार कामती लोकांनी लक्षीमणाचो गुन्यांव आसा अशें म्हणूकूच ना. पूण ताका बरेंच तापोवणे खांवचे पडले. ते राती ताका दोळ्यांक-दोळो लागलो ना. रातभर तो फकत, आपल्या हातीन ही एदी व्हडली चूक कशी जाली ? आपल्याचेर कित्याक वीट पडले नात? काय बरी बाबड्याची ड्रायव्हराकडेन सयरागत जाल्ली. अशेंच तो चीत्तालो. आनी देवाकडेन ' तें एकदाचे कशेंय करून बरे जांवचे ' अशेंच मागतालो.

रात सोपोन सकाळी कावळ्यांची जशी बोंब आयकूंक येव नाका तसो तो उठोन ताजे खबरीक वचपाची तयारी करतालो. कपडे घालून तो भायर सरला मात इतल्यान कोण तरी खबर घेंवन आयलो, ' बाबडे कांती, गेले रे ' आनी लागलो चुरचुरें करपाक. पूण तो लक्षीमणाक मात गुन्यांवी समजनासलो.

हें आयकून लक्ष्मीमणाक एकदम घुंवळ आयली आनी ताणे खळ्यांतल्या माटवाचे म्हेडीक घट्ट वेंग मारली आनी करता, करता थंयच थपकल मारले. वातावरण एकदम सुतकी आसले. कांय वेळान थंय एक अनोळखी मनीस आयलो.

तो मनीस म्हळचार सिव्हीलीयन ड्रेसान आशिल्लो पोलीस हे ताणे सांगल्या उपरांत कळ्ळे. ताजे आवयन ताका व्हरता म्हुण मोटो आकांत केलो खरो. तरीय लक्षीमण त्या पोलीसावांगडा नाव्यार गेलो.

दोनूच दिसानी खबर मेळ्ळी की लोकांनी जरी लक्षीमणाक गुन्यांवी धरूंक नाशिल्लो तरी कायदयान ताका गुन्यांवी थारायल्लो आनी कमीच म्हळचार ताका सात वर्सांची बंदखण फर्मायल्ली.

आनी आयज तो ' स ' वर्सांनी सुटोन येवन त्या इमारतीकडेन, ज्या जाग्यार कांतीचेर वीट पडिल्लो, त्या जाग्यार ताका 'श्रद्धांजली' ओपतालो. हें कोणाचेरूच मोग केलो ना अश्या लोकांनी पळयलें आनी ताका श्रद्धांजली ओंपतल्याक आडखळ हाडली.

म्हजे तकलेन ह्या विचारांचे वादळ बरेंच राती उमरां सुद्धा चालू आशिल्ले. सकाळीं दोळे चोळीत उमगाच उठलो आनी न्हंयचेर वतलो म्हुण पायांक जोती घालतालो. इतल्यान कोणतरी बारीक गजाली करता हें हावेन आयकले. म्हजो बापूय आनी शेजारीच आशिल्ले ते. उलयताले,

' कालूच सुटून आयला खंय मरे तो. आनी आयज कितें काय म्हळचार न्हंयचेर जीव दिलो ? ' बापूय.

' हय रे, पूण हांव म्हण्टा, ताका लज्जेचो इतलो भंय आसलो जाल्यार, ताणे कांतीचेर फातर घालू जायना आसलें.' एक शेजारी.

' ना रे, खरे पळोवंक गेल्यार ती ताजी चुक जायना, आं.' बापूय.

' छे किदे सांगता तू ? चूक जायनास्तनाच ताका खडी फोडपाक भीतर वडयलो ? ' दुसरो एकलो.

' म्हाका दिसता कांतीनूच ताका वडून व्हेला आसतलो. तो किदे तसो पीसो रे जीव दिवपाक. आमकाय आता तांच्यापसून भंय आसा. आता ती दोगांय एक जाली न्हय रे ' एकलो भिवकूरो आपल्या मनातलें उलयतालो.

पूण हांव मात एकूच जोतें पायांक घालून, त्याच जाग्यार उभो रावन ताका श्रद्धांजली ओपपाचो यत्न करतालो.

सगळ्यांनी वाखाणलेली आमची नवी

स्कॉच टेरियर व्हिस्की

संवसारांतल्या खंयच्याय व्हिस्कीपरस बरी अशी मान्यताय मेळिल्ली

RHEAA DISTILLERIES

NUVEM - SALCETE-GOA

अेवजीन ओ-नील-

-आधुनीक दुखांतिकेचे नाटककार

- डॉ. ओलिव्हीन्य गोमिश्

म्हान अमेरिकी नाटककार अेवजीन ओ-नील जल्माक आयिल्लें घराणें आनी ल्हानाचो व्हड जाल्लें वातावरण भोव दुखेस्त आनी घुस्पागोंदळाच्या जाळ्यांत सांपडिल्लीं आसलीं. ती अेका वाग्ल्या भाशेन तांच्या कलाकारी जीणेचेर अेक काळखी, अभागी, अनर्थकारी सांवळी पातळायतालीं त्या घुस्मट्ट्या जंवजाळांतल्यान सुटका सोदूंक आनी सगळ्या बंदनांतल्यान मेकळो सरच्या हेतान ते भारीं कश्टवले. जरी आपले प्रतिभेच्या धर्मान तांणी मर्णाचेर जैत जोडलें तरी निमाणी तांकां जीविताकडल्यान हार खांवची पडलीशी दिसता. जाण्टेपणान, मर्णाचे तडीर आसतना, भौन भौन तांच्या वाटचाक येतल्या आत्मघात करपाच्या विघ्नांच्या तोलान ताणी तिडकीन आपणालीं म्हाकाव्यां-सारकीं नाटकां पिंजून भायर मारपाचें थारायल्लें.

आपल्या जीवितांत ओ-नीलांक सदांच मनीसद्वैताचें आनी मनशा- नरकवासाचें भूत सतायत रावलें. ह्या जगांत जगंक मनश्याचें बळ उणें पडटा, आपल्या वांगड्यां सांगातान सादे, सबावीक, स्वस्थ संबंद जोडपांत मनीस असमर्थ आसा; तो सदांच दोशी, वांटून पडल्लो, उमटग्यल्लो आनी वेगळायल्लो आसता, सदांच भायलो, विपरीत आनी परकी असो; ताका आपल्याच घरचे-घरा केन्नाच खरेलें आपलेपण- अशें दिसना. हें ताका स्पश्ट होल्मतालें. मनश्याचो सबावूच तसो फुकफुको, ताचे भंवतणी मातून आयिल्ल्यो म्हाशक्ती ताका दबकायतात आनी भेश्टायतात, ताचें सांडिल्लें आपलेपण ताका केन्नाच परतें जोडून मेळचें ना, अशें ताका येवजतालें. मोग, दानधर्म, भरवंसो आनी दया, हांच्या आदारान मनश्यांच्यो गरजो भागोंव येतात आनी मनश्या आनी संबसारा मदलो मायेमोगाचो बांदपास परतो जोडून हाडूं येता, पूण गर्व, सुवराथ, अपराध आनी दुस्वास ताचे वाटेक येतात आनी सुवेवस्तेची मांडावळ भंगून उडयतात म्हणपाची जळटो जाणविकाय ताकां अस्वस्थ करताली आनी दुखांत बुडयताली. देखून दिसता मनीस जीणचे निरंतर कात्रीनी शिरकल्लो आसता, सासणाचो वाटेचो वाटसूर जावन उरता, आपणे सुरू केल्ल्या वाटेंतिंटचाकडेन परतून वळटा. त्या घुस्पागोंदळाच्यो आनाळ्यो-गुनाळ्यो, आटेबिटे ताका समजनांत, न्हय म्हणून सोडोंवक येनांत. असल्या ह्या मनीस -आवतिकायेच्या राखेसाचो भयांकृत दिश्टावो म्हळचार ओ-नीलांची अेकूच अेक कल्पना, अेकूच अेक आशय-विशय, अेकूच प्रतिमा जी ताणी अेका फाटल्यान अेक झपझपीत रीतीन बरयल्ल्या आपल्या नाटकांनी साबार आंगांनी आनी कोनांतल्यान आनी खांची-गोंयडयांचेर उजवाड घालून दाखयली.

मोग आनी थिराय सोदपाच्या हेतान ताणी कल्पनेच्या संवसारांत रीग घेतली. पूण तांकां रोखडें कळून आयलें कि आपली कल्पनाशक्ती उगडासांच्या शेंडयांत घुस्पून घुस्मट्टा आनी आपलो दिश्टावो खरेल्या काळ-चक्राचे धुंवरींत पांगुल्ला. ताचो मोग जिवून घेवपाचो आंवडो जायते फावट मर्णा-अित्सेंत रूपान्तर जातालो वा आपणाकूच ना करपाचे धुंदीत विरगळून वेतालो. ओ-नील समजताले कि आपले काळखी आयरीश वंशावळीक लागून आपणाली प्रतिभा आनी जीणेकडेन पळोवपाची नदर तशी उतरल्या. आयरीश मनीस जल्माक येताना सैंबानूच बंडखोर आनी मनांतल्या मनांत तळफेतलो असो आसता. ताच्या बेचैन काळखांत लिपिल्ल्या व्यक्तित्वांत अति-विकाराचीं आनी भावूकतायेचीं, मायेमोगाचीं आनी क्रूरपणाचीं, उल्लासाचीं आनी निर्शेणीचीं तासां अेकटांय आयिल्लीं आसतात. ताचो सबाव दुखेस्त, अेकसुरो, मननकरपी; तो केन्नां केन्नाय सांरो पियेवन बेबदो जावपी आनी गुडार्थ गजालींनी रस घेवपी. ताच्या मनांत वागमिताय आनी काळजांत आनी तोंडार ल्हाय-लोस्णी म्होंवाळ उतर खेळटा. तो शेणिल्लो कसो मनीस जल्माक येता आनी आपल्या आयुष्याचो उरिल्लो काळ भावार्थ आनी सोडवण जोडपाच्या सोदांत सारता. नाटककार आनी सोदपी, ह्या नात्यान ओ-नीलांनी घेतिल्ली भूमिका ह्या आपणाल्या प्रजातीच्या पुराणीक आध्रिरूपाक धरून आसलीं. हे प्रजातीचें अशांत, बेचैन दायज तांच्या घराण्यांतल्यान सहजतायेन उपजल्लें आसलें.

अेवजीन, ह्या नांवाचो अर्थ म्हळचार कुळवंत घराण्यांत जल्मल्लो. ते ओतुंब्राचे सोळावेर, १८८ वर्सा अेका नाटकांत रोंबिल्ल्या घराव्यांत अमेरीकेच्या न्यूयोर्क शारांत जल्माक आयिल्ले. तो घराबो सदांच भोंवडेर आसतालो. ताका समाजांत वा संस्कृतायेंत कायमची अशी बसका नासली. आवय-बापूय हालत्या-धोलत्या अस्तित्वांत सैल सुटिल्लीं, आप-आपणालीं सुखाचीं वेगळीं वेगळीं

सपनां सोदीत. तांकां अेकटांय जोडटलो अेकूच दुवो म्हळ्यार तांचो अेकामेकांत भावार्थ आनी खोल, नुलयत मोग, जाका लागून, तांचे मदीं जीतो-जीवो उलोवपा-हालचालीचो संपर्क नाशिल्ल्यान, तीं दोशी पडपाचो संभव आसलो. अेवजीन आवय-बापायच्या वेगळ्या वेगळ्या प्रतिमांनी फांटिल्लो आनी पिश्टल्लो. जेम्स, ताचो बापूय, अेक नाटकांतलो नट, आपली उत्तम अभिनेत्याची शक्ती दुडू-वस्तू पुंजावपांत खर्चीतालो. अॅला विवनलन, ताची आवय, अेक सपनाळ, आपणाकूच नाकारपी अशी कोनवेंटांत वाडिल्ली, थंड-शांत भोडव्या सारक्या सबाबाची बायल जी आत्मीक निर्मळाय आनीं कुर्पा, हांचे आदर्श बाळगिताली. दोगांय आप-आपणाल्या गर्विश्ट संवसारांत आप-आपलीं निर्धारणां घेवन चलतालीं. बापायची दुडवां-गिरेस्तकाये फाटली धांव तांचे कलाकाराचे हुश्यार अखंडतायेक भश्टायताली, जाल्यार आवयची गूढतायेक लागिल्ली नदर तिचे घर-संवसारी भूमिकेक खुंटायताली. तिची मायेची भुजवण आनी सवस्थ हात त्या घराव्याक उबेचें वातावरण दिवूंक पावलीं नांत. ह्या संघर्शांतल्यान तांचें हुस्क्यांचें आनी अपराधी दिसतलें जीवित घडोवन आयिल्लें. अेवजीन आवयच्या धर्माचो उतरलो, पिडे-रोगान झिरझिरिल्लो आनी हळवो.

ह्या पीडीत दायजांतल्या आयिल्यान आनी ओ-नील कुटुंबांत वसतले तणाव १९१२ वर्सांच्या नातालां रुतूंत अितलें स्फोटाच्या घोंसार आयिल्ले कि अेवजीनांक बारीक जोर कोरांथून, पोखरून खावूंक लागलो आनी तांकां अिस्पटलांत भरती करचे पडले. पूण तांचे बापूय आपलो भाटांचो विकपा-घेवपाचो धंदो करपांत गूल्ल आसले आनी दुडवांचे सट्टेबाजींत रोंबताले, जाल्यार आवय घुंवळी वखदांच्या व्यसनांत कोंसळून मंगरिल्ली. तांचो अेकलोव भाव, जेम्स, सोरो, बायलो आनी खोसपायांनीं काबार जातालो. हो आकांताचो असंतोस केंद्र-घडणूक घेवून, बरोवपी आपणाले कल्पनाशक्तीन पूर्वेक्षण आनी स्मरण करपांत रीग घेवंक गेलो. तेन्नाच्यान तांची खरेली जीण कल्पनेच्या कथानकांत, विलीन जाली आनी तांच्या घराव्याचें भाग्य कलेच्या अगणीत, व्यंग्य मांडावळींत पुनर्आवृत्त जालें. ह्या बारीक-जोर अिस्पटलांतल्या दिसांनी ओ-नीलांच्या आंगांतलो नाटककार ल्हवू ल्हवू रूप घेवंक लागलो, आनी तांचो सगळ्यांत लांबदीक जागयल्लो दीस अेका नातालां रात्री जालो. तेन्नाच्यान, बेबदचा सुरांड्याभशेन ते सतत अेका फाटल्यान अेक अशीं साबार नाटकां बरोवंक लागले.

वेगळ्या वेगळ्या क्षेत्रांनी घेतिल्ले तांचे अणभव तांच्या नाटकांनी रूपान्तर जाले. ताणी रूचनासतना आपल्या बापायचे नाटक-मंडळींत भाग घेतिल्लो, होल्मूंक नाशिल्ल्या भांगरा सोदांत जळारींनी बुसबुसतल्या चिखलाच्या खातोणांतल्यान मदले अमेरीकेची भूंय पांयांनी माडिल्ली, वाळेस तारवटी कसो भोंवडचो केल्ल्यो, सोन्याच्या पेल्यांत मेळटलें सुख आनी निर्शेणी चाखून घेतिल्ली, आवेगान येवून आत्मघात करपाचे प्रयत्न केल्ले, हुनहुतेपणान पयलें लग्न केल्लें, बापायपण जोडिल्लें आनी लग्न-मोड केल्लो. न्यूयोर्क शारांतल्या यमकोंडांत मनीस-उबेचे आनी मनीस-शिनळकेचे नमुने ताणी लागशिल्ल्यान पळेल्ले, 'न्यूयोर्क टेलेग्राफां'त शिकपी- पत्रकार म्हणून काम करतना आनी गेयलॉर्ड सॅना-टोरियमांत बारीक जोरा दुर्येत म्हणून राविल्ल्यान तांकां जीणेचें खरेलें प्रशिक्षण फावो जालें. तांच्यो आशाभंग जाल्यो, पातक, लज आनी दुखेस्ताय तांचे भरीक आयल्यो आनी भ्रामक समाधानां आनी विपरीत सांगात तशेच जीणेचे धक्के-झटके आनी संकेश्टां ताणी सोंसून घेतिल्लीं. हांतल्यान तांचे हळवे, अस्वस्थ भावुकतायेक पोसवण मेळ्ळी. ह्या विपूल मनाच्या देखाव्यांत हजार भावना आनी उगडास, प्रतिकां आनी प्रतिमा, ताल आनी रूपां भरून वोत्तालीं, जंय म्हान अमेरीकी आनी अेवरोपी साअित्यकार आनी मनशास्त्रगिन्यानी आपलोसो प्रभाव तांचेर हाडटाले आनी तांचें साअित्यीक मन घडयताले.

मेकळीक म्हळ्यार ओ-नीलांचो खतखतीत मनोविकार आसलो : रूढीवादापसून, पचाचीत- पोजडपणापसून आनी येसा- कडल्यानपसून मेकळीक. ती वान्सा ताणी सार्थकाक पावयली तशोच शेणयली, भावार्थाक न्हय तर व्यंग्याचेर पावतले द्वंद्वात्मक भावुकतायेक लागून, तांच्या व्यक्तित्वांत दोन विरोधी शक्ती झुजताल्यो, सहजताय आनी भावुकतायेची सोडवण करपाक आंवडेताल्यो, आनी ताणीं तांचे जिणेक आनी कलेक दुखांतिकेचें रूप फावो केलें. तांच्या साबार लग्नांतल्यान आनी भुरगीं-वाळां लागीं जोडिल्ल्यां संबंधांतल्यान तांकां निर्शेणी, अपराध आनी हुस्कोच भोगचो पडलो. अशें आसून, दिमपट्टचा संवसाराचेर प्रभूत्व मेळनाशिल्ल्यान तांचें स्वत्व फाटल्या काळाकडेन परतुपाक सोदतालें आनी संघर्शाच्या थापटांनी पिस्डून वेतालें.

नाटककार, ह्या नात्यान, ओ-नील अमेरिकेंत तेन्ना उदेवन आयिल्ल्या समाजीक आनी बुद्धीक घडामोडींच्या युगांत माचयेर उतरले. परंपरीक अमेरिकी सपनांत अरिश्टां कोंसळून पडटालीं, डारवीनवाद, समाजीक अग्रवाद, उपयोगितावाद, आदर्श-राज्यवाद, समाजवाद अमेरिकेच्या कट्टर-पंथ्यांक हालोवन, हादरून उडयताले. नवें मेकळीकेचें वारें व्हांवतालें आनी दोन म्हाझुजांच्या अणभवां-तल्यान उप्राशिल्ली दुःख आनी अभिघातक मनोदशा तांच्या वांटचाक आयिल्ली. संस्कृतायेच्या मळार नवे प्रयोग जाताले. बंडांचो आवाज उठून येतालो. रूढीवादाच्या खातोणांतल्यान परंपरा मेकळी सरताली आनी रचणुकेच्या चित्तांत केंद्रीत जाताली.

असल्या अनुकूल काळार ओ-नील पावले आनी १९१६ ते १९२२ वर्सां- काळांतलो तांचो साअित्यीक वावर, भोंवतणीचे आनी आशयाचे नदरेन, भोव विविध आनी म्हत्वाचो जाल्लो. तांचीं नाटकां साबार आंगांनी फुलून आयिल्लीं आनी तांतूंत उगडास, हिंसा, अतिनाटिका, भावुकताय, व्यंग्य आनी बळादीक प्रतिकांची रास, ह्यो गजाली विरोधाहांकारी रूपान, दर्या आनी रान, तारवाची गल्ही आनी रस्त्याचो देखावो, बंदखणीची कूड आनी वावराड्यां-मंघा कचेरी, न्यू अिंग्लंडचें घर आनी न्यूयोर्कची मळबाक तेंकपी अिमारत, बारीक जोरा अिस्पटल आनी उग्रें शेताभाट, हांची तांच्या नाटकांनी चिरंगट जाल्या. कट्टर-पंथी आनी खांप्री, सपनाकार आनी शिनळ, बेबदे आनी आत्मघाता-पिशे, अशले तरेचीं तांचीं नाटका-पात्रां. त्या काळावेल्या जिवंत जळटचा

विशयाचेर तांची नदर वेना आनी तांचेर आपली टीका करीत बडयो मारतात. वट्टरपंथ आनी कुळवंतपण, उद्योगवाद आनी शेतकामतवाद, वंश-जातीं मदलो वेगळोचार, वर्गां मदलीं झगडीं-झुजां, व्यक्तिक मेकळीक आनी समाजीक न्याय, येम आनी अपेम, लोकशाय आनी तानाशाय, हें मगळें तांच्या नाटकांनी घमघशीत दिसता. तांच्या नाटच-संघर्शाचें मूळ कारण म्हळचार समाजांतल्या वेगळावपणा परम चड मुल्यांची शून्यताय, जाका लागून हेरांलागी अेकात्मीकरण जोडपाची मनश्यांची सैंबीक तांक त्या पात्रांक मेळना. ओ-नील तेन्नाच्या सैंबवादाच्यो मर्यादा हुपूंक बाबरताले, आधुनीक मनश्याची दुखांतिका आपणाच्यांत घेवून ती रूपान्तरायताले.

'Seruitude', हें तांचें १९१४-आंतलें पयलें पुराय नाटक तांचो जीवितभर वसतलो प्रस्न प्रमाणीक समाजीक वास्तववादाचे पातळीचेर मांडटा. तांचीं पयलीं वयलीं दर्याचेर आदारिल्ली नाटकां म्हळचार : Thirst Fog', 'Bound East for cardiff' 'आधिरूपी दर्याचे प्रतिमावळी भोंवतणी नाटच-अर्थ मांडयलीं. त्या नाटकांचो साधारणपणी आशय म्हळचार मनश्याचें अेकलें-अेकसुरेपण आनी ताची मर्णाची भिरांत.

'Bound East for cardiff', हें १९१४ आंतलें नाटक फुडाराच्या सगळ्या आपणाल्या वावराची नांदी म्हणून ओ-नील मानताले, कित्याक तांच्या सगळ्या मुखेल नाटकांनी भरिल्ल्या जीव-आत्म्याचें आनी जीणेकडेन पळेवपाचे नदरे बीं-बियाणें तांतूंत आस्पावता. हांतूंत धर्तरे-पेल्यानचो दर्या आनी धारे-पलतडची धर्तरी मनश्याची निश्टा जोडचे खातीर झुजतात आनी सैंबाच्या म्हाशक्तीच्या अेकामेकाकडेन जाल्ल्या संघर्शांतल्यान मनश्याचें भाग्य थारता. सैंबाचो आनी मनश्याचो अेकामेका लागचो संघर्श, हो ओ-नीलांच्या चडश्या नाटकांचो उठून दिसतलो विशय. सैंबवादाची भास उपकारावन ताणी ताका व्हडलें मिथीक परिमाण फावो केलें आनी मनश्या-नाटकाचें म्हत्व कवीकुशळतायेन आनी काळीज चिरून उडयतल्या उतरांनी मांडलें, जशें तें 'Beyond the horion', ह्या तांच्या पयल्या म्हत्वाच्या येशस्वी नाटकांत दिसता. तशेंच 'Anna Christie' ह्या वास्तववादी नाटकांत पळेंवक मेळटा. ह्या नाटकांनी ओ-नील सांबाळपी जीणेची पोसवण करून, आपल्या स्वत्वाच्या अेकसुरपणाचेर आनी सैंबाचे नदरेक दिसतले तटस्थायेचेर जैत व्हरपाक प्रयत्न करतात. खरेपण घडोवन हाडपांत भ्रमांत केदें व्हडलें सामर्थ्य आसा म्हणपाचें तांच्या 'Ile' ह्या नाटकांत घसघशीत दिसता. 'Gold', ह्या नाटकांत होच विशय विस्तारान मांडला, जंय भोगविलास आनी खरेपणा सिद्धांतां मदल्या संघर्शांत लाबो-हापहापणाक आपल्याक जाय तें करूंक मेळटा.

'The Eemperor Jones', ह्या नाटकांत भंय-भिरांतीचो अभिव्यंजनावादी अभ्यास केला, जाल्यार 'The Hairy Ape', ह्या वास्तववादी नाटकांत व्यक्तिच्या जणीक आत्म्यांत चलतल्या घुस्पागोंदळांचो सोद मांडला. 'Tne Hairy Ape' -आंत मनीसपण उणें जायत वेतल्या उद्योगीक-यंत्रीक समाजांत आत्मीक मुल्यां कशीं व्हांवून गेल्यांत तें दाखोवन दिलां. तेच बराबर आपले भितर मनीस कसो मोडिल्ले मर्णीची राप जावन पडला, निराशेची फांटिल्ली व्यक्ति जाला, मनश्याचे जीणेचीं भितल्लीं आनी भायलीं आंगां कशीं सामकीं शून्यतायेक पावल्यांत म्हणपाचें प्रदर्शन केलां आपल्या पात्रांच्या पिडे-रोगांत खणून काडून ओ-नील अेक रोगयाळ संस्कृतायेचें चिकित्सक चित्र काडटात. आधुनीक मनश्याचें ताणें केल्लें मेजमाप, आयच्या समाजीक आनी मनशास्त्रीक गिन्यान्यांनी अमेरिकी मनश्याचो अभ्यास केल्ल्यान, खरें आपा म्हणपाची पुश्टी मेळ्ळचा. स्वतंत्रतायेच्या सोदांत तो मनीस बुचवळटा आनी विस्कळीत जाता आनी आपले बसकेंतलो कशीक पडटा म्हणपाचो जो निर्वाळो ताणी दिल्लो तो आयज खरो थाल्ला. मनश्याच्या आप- उत्कर्षाचो प्रस्न पयलेंच फावट 'The Hairy Ape' नाटकांत मांडला. तोच निर्णायक आशय 'The Great God Brown' ह्या म्हत्वाच्या प्रतीकवादी नाटकांत फुडें काडपाचो प्रयत्न केला. ह्या नाटकांत कलाकाराक हेरांनी खऱ्यानीच अेक वस्त कशी लेखिल्ली आसता. जीणेची मंत्रायल्ली तांक सोदचे खातीर ओ-नीलांचें हें घडये भोव खोसदिणें नाटक म्हणूं येत, जांतूंत आयच्या जीविताचे घुस्पागोंदळ तपासपाचो येत्न केला.

हेच भाशेन प्रतिकांनी काणी सांगपाचो येत्न 'hararus Laughed' ह्याय नाटकांत केला. तें म्हळचार सगळ्या सोडवणदारांचें नाटक, सर्वसाधारणपणी अेका पुताचें, जो जल्माक आयिल्ल्यान आधुनीक मनश्याक अस्तित्ववादी प्रस्नांक तोंड दिवचें पडटा. सगळ्या धर्मांचो आपरोस अेकूच आसा म्हणपाचो दिश्टावो ओ-नीलांक जाल्लो दिसता. तो दिश्टावो ते कलेच्या पांवडचार सोदून मांडूंक येवंजताले. येवदी-ख्रिस्ती, ग्रीक-रोमी, चीनी-भारती, हांच्यो जाती-प्रतिमा सदांकाळीक अनंत अभिपुश्टीच्या केंद्रस्थानांत येवन मेळटात. तें 'The fountain' 'ह्या साबार- आंगांनी वेगळायल्ल्या मनश्याचो अभ्यास केल्ल्या नाटकांत आनी 'Marco Millions'- हांतूंत सोद घेवपाचो वावर जाला. स्वामी जेझून मर्णातल्यान जिवंत केल्लो लाझरस मर्णाचें गिन्यान मेळयता आनी जीविताचें मोल होल्मून दिता 'Days Weithout End' ह्या नाटकांत ओ-नीलांचें परंपरेन आपल्या मूळ धर्माकडेन परतवणें, अनिश्चितपण, सट्टेबाजी उठून दिसतात. तो आप-चिकित्सेचो अेक प्रयोग, निखटें नाटक म्हणपाचें ताचें मोल कितेंय जांव, ताणी बरयल्लो प्रस्नोत्तरी धर्म-तत्वांचें शिक्षण दिवपी खेळ म्हळचार जाता.

ओ-नीलांची भव्य नाटकप्रय (trilogy) म्हळचार 'Mourning Becomes Electra.' ती जेन्ना माचयेर आयली तेन्ना फ्रोयडाचो अमेरिकेंतलो प्रभाव सामको तेंगशेंर पाविल्लो, जरी ओ-नीलांचो वावर खरें म्हळचार आपणालेच खरेले नाटच - वृत्तिचेर आटापून आसलो. ते १९२७- आंत मनोविश्लेषणांत रूची घेताले जेन्ना ताणी Strange Interlude'- चो मसुदो बरोवपाक घेतिल्लो, जांतूंत मनश्याचे पिडे-रोगांचो वारकायेन चिकित्सायेचो अभ्यास केला. समाजीक उत्क्रमकाचें नीभ धरून अवचेतनाचो तसोच

रामवळ–अचेतनाचो अभ्यास जाला. ते नाटकत्रयेंत ग्रीक दुखांतिके-भशेन तोच ओरेस्टेस–चो आशय मांडला पूण हांगासर ख्रिस्ती धर्मांत भुजवण घेवपाक सोदलां. समाजीक जाणविकायेच्यो ह्यो दुखांतिका अस्तित्वाचे मनशास्त्र अेके बांदावळीक प्रतिमेंत मांडून ताणी अेक व्हड आनी धाडशी प्रयोग केलो. ह्या नाटकांनी कादंबरीचें आस्कळ–विस्कळ मळ आसा, म्हाकाव्याची शेकानशेक लांबाय रूंदाय आसा, नाटकाची तीव्रताय आसा. मनीस जातीच्या जातीं परींची शोभामिर्वणूक, मोयीं नासतना, मनश्याच्या गुठाचेर उजवाड दाखोवन दिवपाक आस्वडी उदगाराचो उपेग केला. हांचे मदीच ' The Wilderness ' नांवाची तांची अपवादकारी हास्यांतिका आयली, जी न्यू अिंग्लंडचे विनोदी परंपरेंत बसताली.

' The Seeman Cometh ' ह्या नाटकांत चडशी हालचाल ना, आळसायेची आनी विसर पडिल्ल्या मनशांची निसूकपणी खबर केल्ली मेळटा आनी मनश्याक सोडवण हाडून दिवपाक कुर्पेची ताकतिकेची गरज आसा म्हणपाचो आशय मांडला. तोच विशय तांच्या सगळ्यांत जणीक अश्या ' ' Long Days Journey into the Light ' ह्या निमाण्या नाटकांत मांडला. ही तांच्या पिसावल्ल्या आवयच्या जीविताचेर आनी तांच्या तिचे–कडल्या संबंदांचेर आदारिल्ली काणी. नास्तिकपणाच्या जीवित–भरच्या जंवजाळांतल्यान ते भावार्थाकडेन परततात आनी मनश्याचो अर्थ मुळांत ख्रिस्ती संप्रदायांत मेळटा म्हणपाचें तांकां होल्मल्लें सत् ते आपल्या पौश्टीक प्रतिकांनी फुडें काडटात. खुर्सायल्ले जेझूकडेन अेकात्मीकरण सादतना मनश्याच्यान आपली जीण, सगळे आटे-विटे सोंसुनूय, स्रेस्ट करूं येता म्हणपाची तांकां रूजवात मेळटा आनी तांतूंत तांकां मानसीक थिराय आनी भोवूच–आंवडेल्ली थाकाय फाव जाता. ह्या दोनूय नाटकांवरवीं ओ–नीलांनी अमेरिकी साहित्यांत दुखेस्त आनी उजवाडीत ओजस्वीतायेची परिवर्तनशील जाणविकाय फाव केली, आपले संस्कृतायेचे विश्वरूपी अवस्थेची उत्साहीत, अस्वस्थ समजीकाय पटोवन दिली. ' A Touch of the Poet', ह्या नाटकांत तांचे कल्पनेशक्तीचेर विलक्षणा रोमान्तीक दिश्टावो सत्ता गाजयतालो. सोबितायेच्या सोदाक भेटयल्ले हे भावपूर्ण तीर्थयात्री सैंबाच्या विस्वासघातांचेर आनी जीविताचे बेयमानीचेर जैत जोडपाचें साधन म्हणून ह्या साहित्य निर्मणेच्या वावरांत बुडिल्ले.

All God's Chillan got wings', हें नाटक जाती-काती मिश्रणाचो भोव कठीन, गडखळ प्रस्न हाताळटा. अमेरिकी खांप्री दादलो आनी गोरी बायल लग्न करतात आनी मागीर अेकामेकालागीं झगडीं मांडटात आनी तांच्या पुर्वग्रहां भोंवतणी रेवडायल्ले समाजीक, मनशास्त्रीक आनी जीवशास्त्रीक शक्तींचे आविशकार तांतूंत ऊग्र रूपांत दिसतात. हांतुंतली आनी ' loelded ' ह्या नाटकांतली बुद्धीक–निराकार कल्पना मुर्त मनशास्त्रीक रूप घेना आनी उमाळ्यांनी उसळटा. ह्या नाटकाविशीं आनी ' Desire under the rolens ', जंय गांवटी रीतीचो निखटो भोगवाद, कामुकताय दिसतात, हांचेर सेंमरान बंदी घालपाची दमकी दिल्ली. त्या मोगा–भोगा आधि–आंवडया आनी हिंसेच्या जायत्या अर्थाळ केंद्र–बिंदू भोंवतणीं हें नाटक बांदून हाडलां. बायलेक पोटलून धरपाचो आंवडो आनी सूड घेवपाचो किंवाटो, हे आशय सुसंगीत, प्रौढ जीण सोदतले व्यक्तित अेकटोवतात. परिष्कृत कल्पना–शक्तीची देण जांवचे भाशेक तांच्या ह्या नाटकांनी संकेश्टांत मांपडिल्ल्या मनीसकुळाचें काळीज वळखून घेवपाच्या सोदांत ओ–नीलांनी मोलादीक भर घाल्या.

ओ–नीलांचीं नाटकां खुर्सार भोगिल्ल्यो यातना कश्यो म्हणपाचो भास जाता. काल्वार पर्वतार चडटले वाटेन आमी चलून गेल्यार मनश्याक मारिल्ले चाबकां–झेरबंद आमच्या कानार सादतात. तें चाबूक अेका सांतापिल्ल्या आत्म्यान आपल्याच आंगार माल्लां–शे दिसता. पूण तरी आसतना, ह्या सुक्या–सडसडीत सडचार आनी शेकानशेक आयसपैस पातळिल्ल्या रेंवटांत धारे पलतडच्यान दोंगर पर्वत आसात आनी सूर्य अस्तमता तो दिश्टी पडटा आनी आमकां आशा भासायता. कला म्हळ्यार ओ–नीलांच्या धर्म–भावार्थाचें जीणे–रगत, फकत पळ काडपी माध्यम न्हय. ताणीं रचणुकेची प्रक्रिया अमेरिकेंत विकसीत आनी विस्तारीत केली, जिचे वरवीं अमेरिकेंतले नाट्यकलेक ताणी कुळवंतपणाचे संस्कृतायेंतली सोडयलो आनी संस्कृतीक जीवितांत हेरां भयण–कलां वांगडां भोव प्रभावी भागीदार शक्ती केली. ताका लागून तांकां संवसारांतलो सगळ्यांत व्हड आनी प्रतिश्टीत साहित्य पुरस्कार जो नोबेल पुरस्कार १९३६–वर्सा फावो जालो. तांच्या साअित्यीक वावराचेर भांगरा मुकूट बसयलो.

अेवजीन ओ–नीलांची नाटकां मनीस–जातीचे गुन्यांव-अन्यांव, भंय–भिरांत, आनी अरिश्टांच्या चपक्यांत सांपडिल्ल्या वाळेस, आलमपेड्डचारां सवें खोलायेची सानभूती, संवेदना उपजायतात. तांच्या म्हान वावरान अमेरिकी नाटकाक आकांताची व्हड जीवनशक्ती प्रदान केली. आपले कुशळतायेन नाट्यकलेक संवेदनशील प्रेक्षक आनी आपले प्रजेक ताणी राष्ट्रीक पांवडयाचें नाटक दिलें, तें ल्हानसान सार्थक न्हय. तांच्या नाडयार दोन पिळग्यांनी आपले पर्जळीत नाट्य–प्रयोग करून नामना मेळयली, जशे वायल्डर, मिल्लर, विल्यम्स, अिंज, चायेफ्सकी आनी अॅल्बी, हाणीं. अेवजीन ओ–नील १९५३–आंत हो संवसार सोडून गेले. पूण नास्तीकपणाच्या काळखांतल्यान सांस्पीत भोंवल्या उपरांत ह्या आयरीश देवधर्मीश्टांक देवा-धर्माचो उजवाड फावो जाल्लो आनी ह्या संवसाराचो निमणो निरोप घेतना तांकां थाकाय मेळिल्लीं. मर्णा उपरांत, अेवजीन ओ–नील, हांचें नाव विश्व–साअित्यांत आनी भोव करून अमेरिकी सरस्पतींत आनी नाटकांत अजरांवर जालें. तें अजून नव्या नव्या नाटककारांक आनी हेर बरोवप्यांक स्फूर्त दीत आसा.

–■–

'अे लीफ्ट'

– एन. शिवदास

कुठ्ठाळच्या तिस्क्यार ते तांबडे साडयेतले बायलेन म्हाका भर दनपारां हात दाखयलो. माथ्यार वताचो रखरख. घामाच्यो पावळचो कपलावयल्यान पघळटाल्यो. मन खूब सैर भैर जाल्लें, पणजेच्यान आगशीपुलार तसो पूलावयल्या मेकळचा वाऱ्याच्या झोतार हांव तंद्रेतल्यांन भानार आयलो, आनी दोनूय वाटांतल्या दाट झाडां मदल्यान त्या तिस्क्यार पावलो. तिणें हात दाखयना फुडें म्हजी स्कूटर अचळय उबी जाली.

'बाबा म्हाका मात्शी मडगांवा व्हरता ?'–तरणी म्हळचार तरणी न्हय, पळोवंक तरी ती चाळीशितलीच दिसताली, केंस वाऱ्यार उबताले, तांबडे वायल न्हेशिल्ली, आंगार तसलोच पातळसो पोलको. गळयांत कांय एक नासलें, हाताच्या मनगटाक चार कांकणां, पायांत दोन पट्याचें जोतें. हांवें तिका खिणांभितर पळोवन घेतलो. तिजे मुखामळ पयसुल्यान दिशिल्लें तशें नाशिल्लें म्हणपाचें म्हज्या लक्षांत आयलें, खऱ्यांनीच लागशिल्ल्यान ती हांवें अदमास केल्लो तशी चाळीशितली नाशिल्ली. भरदनपारच्या कडार टवटवीत फूल कसल्याय दुखापतीन बावची तशी तिजी आवतीकाय आसली.

'यो बस.' हांवें बसपाक सांगनाफुडें ती स्कूटरी म्हज्यांत आयली. पांय दवरूपाचे पायरेर पांय दिवन ती म्हाका तेकचीना हाची जतनाय घेवन फाव तें अंतर सोडून म्हज्या फाटल्या सिटार बसली आनी स्कूटर चालू करीनाफुडें 'देव बरें करूं बाबा तुका, घरा मात्शी बेगीन पावतली. पोर भुकेन रडटा जातलें' अशें म्हणून वगी रावली.

कुठ्ठाळे ते मडगांव मेरेन आमचो दोगांयचोय तो प्रवास आमलो. प्रवास मोन्यानी जांवकच शकनासलो फुडल्या, खुर्साकडे पावतकच हांवें तिका सैमाच्या नेमाप्रमाणें पयलो प्रस्न केलो. प्रस्न अर्थांत खाजगी. तिजी वासपूस. ती खंयची, खंय गेली, कितें करता हे सगळें जाणां जांवन घेवपाची उमळशीक म्हाका लागली, घडये तिकाय बी कितें तरी सांगपाची उमळशीक लागिल्ली जावंक जाय.

'खंयची तूं ?'– हांवेंच फुडाकार घेतलो.

'वार्केची'– वार्केची सांगनाफुडें म्हाका ती वगीच म्हजी लागशिल्ली दिसपाक लागली. वार्का गांव म्हजे चलणूकेतलो.

'वार्केची खंयची ?'

'पेडातली, सोकोराली बायल, सोकराक वळखता तूं ?' तिजे मनाचें बांदलें सुटलें म्हणपाचें म्हाका कळ्ळें, तिकाय बी मनांच्या तळयाचो घट्ट गुड्डो सोडवंक जाय आशिल्लो. मनांचे घाये अशे चोमो जावन घुस्पून रावतकच थंयूय दुखदेणे येगाचो व्हड संघर्श जाता. ह्या संघर्शांत कूड मात मदल्यामदो आंग सोडपाक लागता. तिजीय अवस्था अशीच कितें तरी जाल्ली जावंक जाय.

'सोकोर ? खंय आसता, कितें करता ?'– हांवें परतो प्रस्न करिनाफुडे ती अधीक मेकळी जाली. ती आपूण फाटल्यानसान उलयता. तें म्हज्या कानार स्पश्ट पडचें म्हणून सिटार वयल्या वयर फुडें सरकली. तोंड मात्शें फाटल्यांन म्हज्या कानांकडें हाडलें आनी सांगपाक लागली.

'सोकोर म्हजो घरकार, वास्को एके कंपनीत ज्युनीयर आसा.–'

'तू इंजीनियराची बायल ?'– तिका थांबयत हांवें विचाल्लें. खऱ्यानीच तिजो भेस खारविणीचो आमलो. पळोवक ती सामकी गांवठीच दिसताली ; इंजीनियराची बायल म्हणून सांगनाफुडें म्हाका पयलो दुबाव आयलो. म्हाका बंडलां बी मारिना ही बायल ? पूण तशी फट मारून तरी ती म्हाका कित्याक वगीच सांगतली ? हांवें तिज्या फुडल्या उतरांक कान दिलो.

'कितें सांगू बाबा, नशीबातलें चुकना म्हणटात ते अशें'– म्हाका आनी एक गजाल जाणवली. ती किरिस्तांव आसूनय सामकी शुद्ध कोंकणी उलयताली. जर फक्त तिजो आवाजच आयकलो आनी तिजो भेस दोळयामुखार नाशिल्लो जाल्यार हिन्दू सुशिक्षीत चलीच उलयता कशें दिसपाचें, म्हज्या मनांत खीणभर तशें दिसलेंय बी. कोणा हिन्दूचो ही चलो मोगान पडून किरिस्तावांकडे लग्न बी जाल्या जातली म्हण. पूण तशें नासलें. ती किरिस्तावच आसली पूण हिन्दू वातावरणांत वाडिल्ली म्हणपाचे तिज्या फुडल्या उलोवण्या-वेल्यान कळ्ळें 'हाव म्हापशेची, तरसवाडचार म्हजे घर, मांयपायची एकलीच धूव, सेंट झेवियर कॉलेजितल्यान बी. ए. पास जाला.'

'वॉट, यू आर ग्रॅज्यूएट ?'– शिकिल्ले चलयिची प्रतिमा जी म्हज्या दोळयासामकार आशिल्ली ते प्रतिमेक तिणे वेर हाडिल्ली. म्हाका अशें दिसलें स्कूटर थांबोवची आनी परत तिका पळोवची.

एके सुशिक्षीत बायलेक हांव वळखूक शकलोना हाची म्हाका खंत जाली. खंयचेय बायलेक हांव पळेताच ती कसली, कोण कितें हें पारखून इश्टाक सांगपी हाची म्हाका व्हडवीक दिसतालीं, पूण हे बायलेन म्हजी जिरयली. ती तिज्या उतरांमदी इंग्लेज उतरां भरसून उलयताली.

तुका अजाप दिसलें न्हय, म्हजी सगळी काणी आयकल्यार तुजे काळीज गलबलून येतले, म्हणून म्हणटाले कि मनशाचे नशीब सामके थारायिल्लें आसता. तें कोणाच्यान बदलूक जालेना. म्हज्या मांय पायन केदी सपनां बाळगिल्ली. धूव बी. ए. शिकल्या, तिका न्हवरोय तसलोच बरो शिकणार मेळाक जाय.

'पूण तुजो घोव इंजीनियर न्हय ?' –हांवें तिका थांबयत विचाल्लें.

'हय, तुज्या मताप्रमाणें म्हज्या मांयपायच्यो अपेक्षा पुराय जाल्यान अशेंच तुका दिसतलें न्हय ?'

'घोव इंजीनियर, सुशिक्षीत म्हण्टकच तशें दिसप सभावीक न्हय ?'

'ना बाबा, मनशाच्या रगतातले मूळ गूण ना करपाक संस्काराय उणें पडलें म्हज्या घोवाच्या बाबतीत–'

'अशें कित्याक म्हणटा तूं ?'

'म्हजी ही दशा पळेल्या तुवें ?

'हय, आतां तुवें सांगतकच तर म्हाका अजापच जालें.'

'तूं कोण तरी आयकून घेवपी आनी काकूट करता तसलो म्हणून सांगता, आनी कोणाकय सांगतकच काळीज ल्हव ल्हव कशें दिसता. आयज हांव वास्को गेल्ली. घोवाचो पागार कंपनीकडे मागपाक'

'घोवाचो पागार, कंपनीकडे मागपाक, म्हणजे घोव बरो ना काय कितें ?'

'घोव बरो आसा, आनी आतां घराकडे आसा, ताजी नदर चुकोवन आयज हांव कंपनीच्या मॅनेजराक मेळपाक गेल्ली. म्हजो घोव म्हाका पैसो लेगीत दिना. कुशाक दोन पोरां आसात. एक सामके दुदाचें, तें म्हजें दूद घेना, ताका लात जाय, आनी लात हाडटोलो जाल्यार दुडू जाय. गावांत कोणालीय ओली उमळून, आयदणां घासून पै पैसो गांठोवन लात हाडटां–'

'घरालागी आनी कोण आसा ?' म्हजी काळीज गलबल्लें, स्कूटर चलयता हाचें भान लेगीत म्हाका नाशिल्लें. स्वयंचलीत माकना प्रमाणे म्हजे हात क्लच घुवणायताली, म्हजे पांय जांय थंय ब्रेक लायताले आनी म्हजे शितीद तिजी काणी दंग जावन आयकताली.

'घरा सासूमांय आसा, पूण म्हाका मारपाक, बुर्श्यो गाळी घालपाक, तूं जाणांय म्हजें मांयन म्हाका तळटावयलो फोड कसो जपलें, म्हजी सासूमांय मात कुल्यावयलो केस्तोड कसो पिळून काडटां.'

'पूण अशें कित्याक, कांय बरी सुंदर तूं ?' –हांवें तिका त्या क्लेशातल्यान भायर सरची, कारण ती भयंकर भावनावश जाल्ली कशी दिसली. घडये तिज्या दोळ्यांतल्यान दुकाय व्हांवतली आसूंक जाय. म्हजी नदरफुडें ती फाटल्यांन, कांय कळनासलें.

'तूं म्हाका खोशी करूंक वयल्यावयर सुंदर म्हणटा तें हांव जाणां, पूण व्यू वील नॉट बिलीव, आय यम जस्ट टूवेंटीएटइयर्स ओल्ड' म्हाका खबर आसा आतां हांव कशी दिसता ता, तुवें फकणांनी सांगिल्लें सौंदर्य म्हाका आसलें, हांव सुंदर दिसतालें म्हणून सोकोर म्हज्या फाटल्यान लागलो.'

'पूण तू म्हापशां, तो वार्केचो, तुमची खंय भेट जाली ?'

'वास्कोच, म्हजो भाव थंय कमर्शीयल आर्टीस्ट आसा, हांव म्हज्या भावासरी वेताली तेन्ना थंय एकदीस सोकोर नदरेक पडलो. म्हजी नदर पयल्याच धपक्याक घसरली. गुटगुटीत, रूंद मुखामळाचो सोकोर म्हाका मानवलो, इंजीनियर आसा हे कळटकच चड खोशी जाली. आमचो मोग दिसान दिस फुलत गेलो. आमचें काजार जालें आनी मोटे खोशयेन हांवें मांयपायचो निरोप घेतलो. गांवची सीम हुपली. सिमेभायर सोरो वोतलो सिमेचें कांतार गांवभावानी उमेदीन म्हळें आनी म्हापशेचे धुवेक साश्टीक धाडली. कांय दीस, कांय राती खूब बऱ्यो गेल्यो. म्हजें पयलें भुरगें जालें तें तशा खोशयेच्या गोपातल्यान. दुसरें भुरगें जालें ते अदर्धां सुखातल्यान अदर्धां दुखातल्यांन, आनी आता तर गेल्लें चार म्हयने जालें म्हज्या वाटयाक दुखाबगर दुसरें कांयच ना. उपाशी पोटार गांव भोवता–'

'पूण तुज्या घोवाक मात्तूय लज कशी दिसना ?'

'तो आता डायवर्स मागता.'

'कित्याखातीर ?'

'तो म्हज्या चारित्र्याचो दूबाव घेता.'

'दुबाव घेवपाचें कारण कितें ?'

'म्हजें आधुनिक वागप. अडवन्सड बिहेवियर !'

'म्हणजे कितें ?'

'म्हणजे दोन फामिलामदलो संस्काराचो फरक. म्हजें फामील शिक्षीत. म्हजे घरचे वातावरण खूब आधुनिक, आमचे चितप, विचार करप आताच्या काळाप्रमाणें, म्हाका सगळें ठाकठीक जाय. घर व्यवस्थीत जाय. निवळ. म्हाका दिसलें सोकोर इंजीनियर म्हणटकच ताजे घरचेय वातावरण तशेंच आसतलें, पूण सोकोर फक्त शिकिल्लो. पुस्तकां वाचून आनी प्रॅक्टीकलां करून इंजिनीयर जाल्लो. पूण भितल्यान तो घरचे संस्कार घेवन आसलो. न्हेमताली बरो पूण ताज्या भितल्या भेसांत ताजे खाखी रूप आसलें तें म्हाका उप्रांत दिसले.'

'म्हणजे सोकोर खाखी ?'

'हय, ताजो पाय रापणकार, मांय नुस्ते विकपी, घरांतलें वातावरण सामकें हळशीकवाणें, तरी लेगीत हावें दिल्लें घर समजून घर सुधारपाचो वावर हातात घेतलो. कुजीन निवळ केलें, मेळत थंय पडिल्ली आयदणां, कपडे मांडून दवल्ले, सालाची मांडावळ केली. खंयची वस्ती, खंय तें मांडले, म्हज्या सपनातलो संवसार मांडटा मांडटा सासूमांयक म्हजीं मांडावळ मानवना जाली. घरांत जाळ उडवप, नस्तें खंय दवरप, आगणांत धुकरांक निवळ कुंडो घालप,

परभर कॉंब्रडचो भोवप, सगळी दुर्गंधी म्हाका शिसारी हाडपाक लागली. आनी तातूंत भर म्हणून सांसूमायन एक दीस म्हाका कासाटो मारूंक फर्मायलें.

' कासाटो ?'

' हय, मडगांवा नुस्त्या मार्केटान कासाटो मारून नुस्तें विकूक बशिल्ली खारव्या पळोवंक ना तुवें ?'

' समजलो, म्हणजे सांसूमायन तुका मडगांवा नुस्तें विकपाक फर्मायलें.'

' हय, आनी मागीर हांगाच केंग पडलें, जालें, मारपेट, आथळ धुकळ सुरू.'

' पूण सोकोराचें कितें, तांका हें सगळें मान्य आपलें ?'

' तीच तर मज्या, म्हजें निवळ निवळ वागप ताज्याय दोळ्यांनलें कुसळ जालें, हांव लीप रावता, बरें न्हेमता ताजेर तो म्हाका भुलील्लो पूण काजरा उप्रांत मात हांव बरें न्हेसिल्लें. ताका मानवना जालें, ताज्या मतांन हांव वाडचावयल्या चेड्यांक भुलोवपाक घरांत आसतना लेगीत तशें न्हेमता. तो म्हजो दुबाव खावपाक लागलो, सासूमांय ताज्या दुबावाक भर घालपाक नाका नाका आशिल्लें घडोवन सांगपाक लागली. हांव अमक्याकडे किरयता, तमक्यांक हांसता, आमी मेकळ्या वातावरणातल्यान आयिल्ली. कॉलेजीत शिकतना चेड्या–चेडवाकडेन मेकळेपणान उलयताली कसले पातक नासलें, मन निर्मळ आसलें, ते म्हजें निर्मळ मेकळे मन हांगा मुक्त जावपाक पळोवंक लागलें पूण ताजो भलतोच अर्थ आयलो.'

' पूण तसो कोण बी तुका लागी जातालो ?'

' कोणूच ना, फक्त म्हजें मांयच्या घरांतले वागप हांगा घोवा घरा दुबावाचें जालें, आनी आयज म्हजीं ही दशा. सोकोर म्हाका पैसो दिना, रक्ताच्या भुरग्यांचीय काकूट करिना, देखून ताजे कंपनिच्या मॅनेजराक म्हजें दुख सांगपाक हांव गेल्लें, अर्दो तरी पगार भुरग्यांपासत भायल्या भायर कंपनीत म्हाका धाडचो म्हणून हांव मागपाक गेल्लें, पूण कंपनी तशें करूंक शकना खंय.'

तिजें नांव हांवें आजून तिका विचाल्लेना. तिज्या त्या भावनावेगान सांगिल्ल्या दुखभरीत गजालिनी हांव इतलो बुडलो, म्हाका मडगांवा. केन्ना पावलो ते समजलेंचना.

' बाबा पावली आमी मडगांवां, म्हाका गार्डनालागी दवर.'

' आं. हय, पावली.'

' बाबा, तुका खूब वायट दिसलां आसतलें न्हय?'

' कित्याक ?'

' म्हज्या कर्मांची काणी सांगली देखून.'

' बिलकुल ना, तुजी गजाल आयकून तुज्या घोवाक पळोवपाची उमळशीक जाली. वार्केचो म्हणटकच ताका केन्ना तरी पळयिल्लो आसूंक जाय, तोंडावयलो आसतलो. हांव वार्का शिर्वीस करता न्हय ?'

' वार्का शिर्विस करता ?' तिणें अजाणान विचाल्लें, तिकूय बी हांव खंय तरी गांवच्या नांवान लागी कसो दिसलां जावंक जाय.

' जावं बाबा, तुज्या धर्मान हांगा पावलें, ना जाल्यार बसीत लज जातली आमलीं-' तिणें हातातली रिती पर्स झेलयेत म्हळें.

' लज शी कित्याक ?'

' बाबा, मडगांवा येवपाक म्हजेलागी पैसे नासले, त्या खातीर आशिल्ल्या पैशानी कुट्टाळेमेरेन पावली, देव बरें करूं तुजें,' आनी तिणें अशें म्हणपाक आमी मडगांवां गार्डनालागी पावली.

' राव देंवता हांव '– तिणें म्हळें आनी कलेक्टर ऑफीसा सामकारा स्कूटर उबी केली.

' हों पळे हो तो, स्कूटराची कीक मारीना तो,' अशें म्हणून ती बेगीबेगीन देवली. आनी योगायोगान त्या स्कूटरीर कीक मारतल्यान म्हाका पळेलो आनी ताका पळोवन म्हज्या काळजांत धस्स जालें. हो सोकोर, आरे कांय वर्सां आदी पणजे आल्तीनार पोलेटेक्नीक हॉस्टेलांत म्हजे वांगडा राबतालो तो सोकोर? हावें ताका हात हालयलो आनी आवूज जावन झूम करून ताजे नजरे पयस वचपाक स्कूटरीचो क्लच घुवणायलो. म्हाका फाटल्यान वळून ती ताज्या म्हन्यात गेल्या काय दुसरेवाटेन गेली तें लेगीत पळोवपाचो धीर जालोना. ' आरे हो सोकोर, म्हजो एका तेपावयलो फ्रेंड !' म्हजें मन मनातच पुटपुटलें.

–❀–

With Best Compliments From :

ONLY THE BEST MAKE HISTORY

HERSONS

(THE FIRST NAME IN SPRINGS)

Herson is known for quality, Thear of reliability has been by making product which meets The Sringent Standard of Original Equipment Automobile Manufacturers.

When You Need Springs Ask For Hersons.

Hersons (India) Steel Industries

OFFICE :
Nandanvan Apartments,
Luis de Miranda Road,
Margao-Goa.

FACTORY :
Shed No. D2-26,
St. Jose de Arael,
Margao Industrial Estate,
Margao-Goa.

HERSONS Telex : 196-205
Phone : 22975 21246

घुसमट

– कु. सुफला शंभू किर्तनी

सकाळचे साडे धा जावन गेली. साडेसाताक हे भायर सरून वतगीर म्हजी हि धावपळ जाता. भुरग्यांक उठवप, तोंड धुवप, च्या पिवय, न्हाणोवप, अभ्यासाक बसोवप, आनीक हांवे रानचेकुडीतले आटोपून घेवन साडेधामेरेन नुस्त्याक वचप तेन्नाच पेपर, भाजी, फळा सगळे हाडप इतलेंय करून दनपरां बारावरांचेर जेवण मेजार दवरूंकच जाय म्हजो सामकी धांदलच जाता. कित्याक भुरग्यांक साडेबारामेरेन बिल्डींगेचे सकयल उबी दवरूंक जाय. मागीर अस्कोलाचो टॅम्पो साडेबारांक येवं नातर पावणेअेकाक. तातूत मदीं पुस्तकां पळोवप, युनीफॉर्म बुट, में, बुटांच्यो लेसीलेगीत टिफीनबॉक्स, वॉटरबॅग, टायकंपास, रंगपेटी बरे टिफीनात कितें घालू काय विचारल्यार अेकअेकल्याक येवजूंक धाबारा मिनटां सगळे हाताकडेन मेयळे तर वॉटरबॅगातली नळी नाच् जातली. नातर दोघय तिडायतले, झगडटके तरी.

बारा जाली म्हण्टगीर ताका जेवोवप. अेकदां गेलें कि साडेपांचमेरेन मात्सो सुसेग. तातूंत मांय न्हिदून म्हण्टगीर तिजे सेवेक हजर रावंक जाय. सांचे हे पांचमेरेन येतले म्हूण हांचेखातीर खावंक करूंक जाय. म्हाका तरी अशे दिस्ताबाये म्हाका ह्या दोन भुरग्यांचे करता म्हळचार अितले जाता पूण म्हजे मांयकबाबडेक पांच पांडवाक सांभायटा म्हळचार कितें जाताले काय ? परीक्षा जावपय म्हळचार भंय दिसता. अेकल्याक चड मार्क पडत तर दुसरो चवतायटा. तितलोच वेळ अभ्यास करून तुका चड मार्क कशे ? आनी तांची समजूत काडटा म्हळचार म्हाका नाका पूरो जाता.

भुरग्यांक नातालाची सुटी पडली आनी म्हजी व्हडलो भयण व्हडल्याक आनी व्हडली नणंद दुसऱ्याक घेवन गेली. घर उक्ते उक्ते जाले. मांयक लागून म्हाका सुटयेत खंयच वचूंक मेळनासले. पैरचीच गजाल शेजाऱ्याचे दो. नाडकर्ण्यांगेर लग्नाचो वाढदिस. सगळ्या दोतोरांकच आमंत्रण. हांव आनी हे गेले म्हजे सामकार अेक जोडपे बशिल्ले. म्हाका पळोवन ती बायल हासतगीर हांव गोंधळातच पडले. कोण ते वळखू येना. तू सुविधा शानबाग न्ही ? –– तिणे हांसत विचारले.

'हय, पूण पयलीचे. आताचे देविका साखरदांडे. हे म्हजे मिस्टर श्री. देवकृष्ण साखरदांडे.' तुमकां वळखले ना हांवे- हांवे सांगले 'हांव विनीता देसाय आनी आताचे अनधा अनिल प्रभू ' हे म्हजे मिस्टर. ताणे हांसत वळख केली.

हांवें हासत नमस्कार केलो. हांवें गोंधळून नकळत उतरां सोडली, ' विनी, तुजे लग्न केन्ना जाले गो ? आनी तू खंय रावता ?'

'म्हजे लग्नाक पांच म्हयने जाले. हांव ह्याच वाडचार रावता' ताणें म्हळे.

' केन्नाच्यान ?' म्हजे घोवान विचारले.

' जाले तीन साडेतीन म्हयने '– विनीन म्हळे.

हे म्हाका पळयत म्हणू लागले– इतले जीवाभावाची तुजी मैत्रीण अितले लागी रावन तुका कळ्ळे ना– सगळी हांसली.

तुमीय हांगा रावतात म्हूण खबर ना. नविच हांगा आयली तेन्ना वळख गरजेची आसली. तुमी मेळ्ळचार चड बरे जावपाचें– ताजे घोवान सांगले.

दुसरे दिसा विनीक आमगेर येवंक म्हजे घोवान ताका कशे आनी खंय येवप ते विस्कटावन सांगले आनी आमी आमचे गाडयेन घरा वचूंक गेली. म्हजो जीव थाऱ्यार नासलो. विनीचो घोव अनिल प्रभू कसो जालो ते तर रातदिस रमेश वाघमोरेच्या मोगान बुचकळ्यो खाताले. केन्नाकाय दुसरो दिस येवन विनीकडेन उलयनशे जालें. दुसरे दिसा विनीक घोवान बिल्डींगेसकयल सोडले आनी ते भायलेभायर गेले. हेय डिस्पेन्सरीत गेल्यान मन सोडून हांव उलयले. विनीक पयलीपसून खूप बडबडूंक जाय. ' सुविध तुका लग्नाक सांगतली म्हळचार पत्तोच नासलो गो. म्हजेकडेन आनी तुजे भैयान फ्लॅट घेतमेरेन तुजी मम्मी डॅडीय थंयच रावपाक गेली आनी तांचो पत्तो मेळ्ळो ना. पूण सुविध, कितें बारीक जाला गो तू आकवार आसतना कितले मोठे असले गो ?'– ताणे उलोवंक हात घालो.

हांवे हासत म्हळे, ' तूं कितें कमी जालां ? पयली किडकिडीत. ह्या दोन वसांत म्हजें नजरेआड जायतमेरेन बरें फुगला म्हूगो तू ? विनी निमाणे तुजे ग्रॅज्युयेशन जाले म्हूगो ?'

'ना गो बाये, कशे जातले ? त्या रमेशान... पाडा पडू ताजे. घातकि खंयचो–' हांवे ताका थांबयत म्हळे, निमाणे जायना म्हणू लागलों ? शें ऽ ऽ तो बरों जायत आसलो हांवेच मन फाटी घेतले. ताणे अळंग शब्दात सांगले. हांवे म्हळें, तुवें ?... तुवें शे गो बाये कित्या?

' सुविधा तूं जाणा ताजेकडेन सगळे सगळे आसले अमकेच ना म्हणपाप्रारखे ताजेकडेन कांयच उणे नासले. ताजे धाडस, अभ्यास करपाची चिकाटी आनी रूप पळोवनच हांव ताजे मोगांत

(पान २८ चेर)

लोकनीती

– राम बाळकृष्ण प्रभु चोडणेकार

या जगांत मनशांचो एक–एक असो समूह कार्यरत आसता. एकाच प्रदेशांत अशे कितलेशेंच समूह काम करीत आसतात. त्या समूहांचे सामाजिक प्रश्न आपसांत तयार जातात ते थरवपाक राजनैतिक विचार करचो लागता. त्या समाजांत रावप जरीय ताका आवडटा तरीय या राजनैतिक प्रश्नांक लागून समाजांतलो आपलो राबितो सुखी कसो जातलो हाची चिंता ताका सतायता. मनशाल्या विचारांचे चक्र घोळिल्ल्या मार्गान तो नव्याचीच आस धरता. राज्य-व्यवस्था कितलीय बरी आसल्यारय ती हिशबान चलना. आमचेर राज्य करतलें तें सरकार कसलें आसतलें हाची चिंता ठरताच. आमी कितलेंय 'माय–बाप' सरकार अशें जरीय म्हळें तरीय तातूंत 'सर्वोदय' घडी–सारखें तें आसचें आनी जबरीन हुकमत चलौपी तें आसनये अशी आशा करची पडटलीं. सरकार चलोवपाच्यो सगळ्यो पद्धती गरज पडटा तेन्ना बदलवच्यो पडटात हें जरीय मान्य केलें, तरीय तातूंत उण्यांत उणे १) जांका तांक आसता तांची सेवा लोकांक मेळची २) जनता पूर्ण स्वावलंबी आनी एकमेकांकडेन सहकार्य करपी आसची ३) आनी सगळ्यांक ताच्या प्रामाणिक श्रमाचे मोल फारीक जावचे. हें स्वराज्य नीतीन, पैशांनी स्वावलंबी लोकांखातीर लोकांनी चलयिल्लें आसचें. हाचोच अर्थ तें आत्मशासन असो जाता. जेन्ना शासक आपल्या वर्तनाचेर काबू (control) दवरपाची शक्त आनी कर्तव्याचें भान राखता तेन्नाच स्वराज्याचो उदय जाता. नातर, तें राज्यच उरता. मागीर तें दिल्लीच्यान चलूं ना तर मद्रासच्यान चलूं. गांव–गावांत जण एकलो जें आपल्याचेर चलयता तेंच स्वराज्य. आमचेर दुसरो शासक जावन चलयता हीका 'सर्वोदय' पद्धत म्हणूंक जायना. शासन व्यवस्था सगळ्याकडेन वांटून वचची आनी म्हत्वाची सत्ता केंद्राकडेन उरची. प्रादेशिक स्वयंपूर्णता आसूनय सत्तेचें विकेंद्रीकरण जावचें. हें आपलें राज्य आसा अशें जणएकल्याक दीसचें हें बदलत्या लोकनीतीतलें मूळावें तत्व कायम उरूंक जाय.

आमी स्वतंत्र जातगर पाश्चिमात्य संस्कृतायेचें लोकतंत्र उधार घेतलां. तें भारताक उपकरतलें जाल्यार तें हांगाच्या परिस्थितीक अनुरूप अशें तें आसूंक जाय. ताचे भारतीयकरण जावंक जाय. ज्या सत्तेंत जनतेंत स्वातंत्र्याचे हक्क उरनात ती सत्ता उपयोगाची ना. आमी प्रत्येक जण गोडाक मूस लागतात तशे धांवत आसात, सत्ता हातांत घेतगर तांचे ध्येय बऱ्याचें काम करचें हेंच आसूंक जाय. आयचें लोकतंत्र हिसेचेर आनी मतांची संख्या चड आसप हाचेर आदारून आसा. पक्षाची गरज आशिल्ल्यान एकमेकांकडेन तेढ कायम उरपाक कारण जाता. राष्ट्रवाद नांव घेवनय प्रांतीय भावना चेतवप सुरू जाता. सत्ताधारी पक्षान विरोधी पक्ष आसप हें मान्य केलां, म्हणटगर सत्ताधारी पक्षाक शुद्ध करप कोणाच्यान जायना. ज्यो चुको सत्ताधारी पक्ष करतलो तांचेच अनुकरण करून विरोधी पक्ष पावला मारतलो. त्याच बऱ्या-वायट चुकांचीच तो नकल करतलो. हांतूत विरोधी पक्ष चुको वोडून घेवपी चुंबक जाता. आज खंयच्याय पक्षांत मतभेदा शिवाय कांय ना. कोणालीच बुद्ध आनी नीती जागरूक ना. राजनीती आनी लोकनीती हांतूतल्या नीती या शब्दाक अर्थच ना. राज्य चलोवप, लोक व्यवस्था राखप आनी पक्षाचें बळगें संघटीत आमप हेंच्य नीतीशिवाय शक्य ना. मटक्याचे बीट घेवप्यांत जीतली नीती आनी संघटन चातूर्य आसा तितलेंय या पक्षांकडेन कांय वेळार नासता.

सामाजिक कार्यकर्ते तीन नमुन्याचे आसतात. सत्तेंत वांटो घेवन बावुरणारे, सत्तेच्या भायर रावन सत्येर आशिल्ल्यांचो मत्सर करणारे, आनी सत्येच्या भायर रावन आपलें काम कीं आपुण अशें मानणारे. सत्येर येवन सत्ताधारी पक्षान जो फायदो घेतला तसो फायदो घेवपाकच विरोधी पक्षाक सत्येर येवपाचें आसता. सत्ताधारी पक्षाक आनी ताच्या चुकांक सुधारपाक ताच्या हातांत कांय ना. चडांत चड लोकांचें बरें' जावपाचें ध्येय धरिल्लें आशिल्ल्यान 'सगळ्या लोकांचें चडांत चड हीत' हें ध्येय फाटी पडलां. आज राज्य चलोवपाक चड मतां अेकठांय करचीं पडटात. पयलींच्या काळांत शिपायांची संख्या दाखोवची पडटाली. आज बुद्धीवान मनशाल्या बुद्धीचें कांय काम ना, ताणें आपणालें मत दीतगर जालें. त्या मताचें मोल एका अप्रबुद्ध मनशाच्या मतायेदेंच आसता. म्हणून मतदार सुबुद्ध, विचारी आनी चौकस–सादूर आसचो लागता. आमी आमच्या जिणेचे सगळे राजकीय अधिकार उणी अक्कल आशिल्ल्या मनशांक दीतात या सारकें पातक दुसरें कसलें आसूं येता? बरो मनीस केन्नाच निवडून येना. हाचे मुखारय पांच वर्सांनी वेगळें घडटलें हाचीय बी खात्री ना. निवडून आयिल्ल्या मनशांचें शील, चारित्र्य कशें आसूंक जाय या खातीर लोकमत तयार करचें पडटलें. पयलींच्या पंचायत राज्यांत 'पांचजणात परमेश्वर' मान्य जातालें. त्या पांचजणाचें एकच उतर आसतालें. आतां तीनांच्या विरुद्ध दोन जाल्ल्यान 'तीन मुखी परमेश्वर' जाला. या निवडणूकांनी जाती भेद वाडोवन घाले हो मोठोच घाताचो प्रसंग आयला. जातीभेद, धर्मभेद आनी पक्षभेद हांची दोरी भारताच्या स्वातंत्र्याक गोळाक लायता. ही चड भयाची खबर आसा. भोवमत्ताच्या नाडयार लोकांक नाका आशिल्लो निर्णय ते निवडून दिल्ले लोक घेतात.

असल्या पक्षाच्या राजकारणान लोकांच्या हितसंबंधांची राखण जातली ही फटीची खबर आसा, हो भ्रम आसा. आपली राखण आपूण करूंक शकता हाची जाण लोकांक उरना, आनी ते आपलो कारबार आपल्याच्यान नजो जाल्लेवरी, न्याय करूंक आपुण नालायक जाल्ल्यावरी जें कितें करपाचें तें लोकप्रतिनीधीं वरवी करपाचें, अशें थरोवन मेकळे जातात. धनी हांव, आनी म्हजो प्रतिनीधी म्हणजे नोकर. म्हाका तान लागल्यार ताचे खातीर उदक पियेवंक ताका रावंक जाय; तो येवन उदक दितगर पियेतलों, नातर ताची वाट पळयत रावपाची. ताणे जर तें उदक दिवपाक कालगत लायल्यार पांच वर्सां वाट पळोवपाची. अशे तरेन हांव फकत नांवाचो धनी जातां. पूग जरें पळयल्यार हांव गुलामच.

आपल्या हातान उदक पियेवपाचो अधिकार अशे तरेन उरना. राज्य शासनाचे आयचे सगळे प्रकार आपणाली सत्ता चडांत-चड कशी चलतली इतलेंच पळयतात. आज भारतांत केंद्र आनी राज्यांचो विचार केल्यार दर शंबर घराव्यांच्या प्रजेच्या कुटुंबाक स सरकारी नोकरांच्या कुटुंबांक पोसचें पडटा. दर २०० मनशांव्हातीर तीन सरकारी नोकर लागतात. हाचो विचार कोण करता? प्रतिनिधीं-मार्फत लोकांचें कल्याण जातलें अशें सरकार सांगता. समाजच आपल्या कल्याणाचें येवजितलो अशें कोण सांगना. सरकारान प्रजेच्या कल्याणाची इत्सा दिल्लींत रावन करप हें विचित्रच जातलें. भाशेचे प्रस्न थरवप, समाज सुदारणा कशी करप, आवड-नावड, जातीभेद, लग्नाचो विचार, सिनेमा खंयचो दाखोवचो, अमल्या सगळ्या बारिक विशयांचेर दिल्लींतल्यान निर्णय घेवपाचो पडल्यार सगळो जनसमुदाय पराधीन जावचो पडलो. या खातीर दिल्लीची सत्ता कमी जावंक जाय. हातूंत जनतेच्या हातांत स्वतंत्र पद्धतीन कामां करपाचे कांयच उरना आनी समाज सुदारप, शेतीचें सुदारप शिक्षण, साहित्यिकांक दिवपाचें उत्तेजन, उद्योगाचें वर्गीकरण करप अशलीं सगळीं कामां सरकार लोकांखातीर करतलें. आज जे कोण-कोणाक मदत करीनात, तें काम सरकारचें म्हणून वोगी रावतात, ते फाल्या शेजारच्या घराक उजो लागल्यारय तो उजो सरकार पाळयतलो, तें आपलें काम न्हय म्हणून वोगी रावतले काय कितें?

आतांच्या मुख्यमंत्र्यांक पांच वर्सांत जें काम करूंक मेळटा तें पयलींच्या राजांक करपाक पन्नास वर्सां लागतालीं. आयचें शासन बरे करप नातर वायट करप हें झटपट करून चलें. ताका आनीक वेळ लागना. नांवा पुरती प्रजेची संमती घेवन सत्तेर आयिल्लें सरकार आपणाक जाय तें करून वता; कारण ते सांगता कीं, आपल्याक प्रजेन निवडून दिलां. पयली बरें-वायट कितेंय केल्यार राजाक भूशण आनी लांच्छन आशिल्लें. आतांच्या घडपाक जनते शिवाय दुसरो धनी ना. आमच्या हातांत मतदानाचो हक आयलो म्हणून खऱ्यानीच आमच्या हातांत सत्ता आयल्या? हाचो इतलोच अर्थ समजूंक जाय कीं जेन्ना एका प्रदेशाचेर बरो मुख्य-मंत्री मेळ्ळा तेन्ना बरें राज्य चललें, आनी एकादो वायट आयलो जाल्यार बरें कशें जातलें? पयलीं लोकमत विचारांत घेनाशिल्ले, आज लोकमताचे नाटक उबें करून सत्तेचो स्विकार करतात. आज शंभर मतां दिणाऱ्यांतले साठ लोक मतां दितात. आनी बाकीचे चाळीस दोनात. मत दितल्या साठ लोकांतली तीस मतां ज्या पक्षाक मेळटात तो राज्य करता. बाकीचीं तीस मतां दुसऱ्या पक्षांक वांटून चललीं. हाचो अर्थ इतलोच जाता कीं, तीस लोकांची सत्याच इतरांचेर चलता. असेंब्लीत बिलां पास करतानाय असल्योच गोष्टी घडटात. गरज पडटगर प्रधानमंत्र्याकच सगळे अधिकार आनी सत्ता दिवची पडटा. पयलींची राजसत्ता आनी आतांची लोकसत्ता हातूंत कसलो फरक आसा? आज केंद्रांत आनी राज्यांनी हिंदु-स्तानच्या प्रत्येक गांवा कणकणी हीच सत्ता नियंत्रण करता. गांवा-भायलो कोणय गावांत येवप आनी रावप हाचो निर्णय करपाचो हक केंद्राकडेन आसता. गांवांक आसना. परगांवचो लोक येवन धंदो, व्यापार, शेती कावीज केल्यारय तोंड उगडपाचो हक गांववाल्याक ना. गावाक सांगप चललां हातांचो उपेग करून तुमी कामां करात. तुमची बुद्धी चलोवपाची गरज ना. आनी अशी दशा जातगर गांवांतल्या तरणाट्यांत उमेद, उत्साह कशो तगतलो? मागीर गांवच्या प्रांतीय अस्मितायेक बोट दाखोवन सांगप जाता, 'ते लोक सुशेगाद-आळशी.' मनशांच्या हातां बराबर तकलीय काम करता. गांवच्या गरजांचेर आनी जमीन सारख्या मुख्य वस्तूं-चेर गांवचें नियंत्रण नासप, आनी नोकऱ्यांक परकी प्रांतांच्या अधिकाऱ्यांचेर ती सत्ता सोपवप हें गैर आसा. ही सत्ता गांवकारांच्या हातांत उरूंक जाय.

वेंचून काडील्ल्या प्रतिनीधीचेर पातेवन रावन तांचेर सत्ता सोंपोवप हो मार्ग चड भयानक आसा. जे लोक आपले घरचो शासनाचो भार आनी राज्य चलोवपाचो भार अशा प्रतिनीधीचेर सोंपयतले ते आपलो धर्म आनी विचारशक्तीय घाण दवरून रावतले, ते निःसत्व जातले. राज्य करपी बरो आसूनय चिंता उरप हें परिस्थिती कशी येतली हाचेर उरता. शासनमुक्त समाज आसप हेंच ध्येय आसूंक जाय आयची राजवट बरी आसा ती फाल्यां केन्ना रूपांतरीत जावन दायट थरन हें कोणाच्यान सांगपाक जायना. या खातीर लोक आपल्या शक्तीन, ताकतीन, स्वावलंबनान ह्या प्रसंगाक तोंड दिवचेनात तोपर्यंत वायट शासनच न्हय, तर बऱ्या शासनाचोय विचार जावंक जाय. सरकार मार्फतीन प्रजेचें बरें-भलें जातलें हाका अर्थ ना. तें बरें फक्त ती शक्त प्रजेच्या हातांत आयल्यारच जातलें. शासक कोणय आयलो म्हणून तें बरें जावपाचें ना.

या खातीर आहिंसेचो विचार तेन्नाच येतलो, जेन्ना सत्या गावां-गावांनी वांटून वतली. हाचो अर्थ हो न्हय कीं, गावां-गावांनी अधिकार दिवचो. हो अधिकार तेन्नाच मेळटा, जेन्ना गावांत आपलो कारबार करपाची समजण येता-जाण येता. देशांत चड दवाखाने, शिकपाच्यो चड सोयी केल्यो म्हणून प्रस्न सुटनात. हीं कामां करून देशाच्या शक्तींत वाड जायना. जण एका देशाची शक्ती त्या देशांतल्या सुजाण अशांच्या चरित्र्यान जाता. सैन्यांचें बळगें वाडोवन देशाचें बळगें वाडना. तर देशांतल्या गुणांचो विकास जितल्या प्रमाणांत जातलो, ताचेरच ही देशाची शक्ती अदमासपाक शक्य जातलें. देशांतली कॉलेजां, दवाखाने कितलींय उगडूंत, पूण तीं करूणेच्या बदला उपकरची नात. मनशांक 'तृष्णा' लागपाचो जागो स्कूलां आनी कॉलेजी न्हय. मुळाव्या गुणांचो विकास करूनच देश मुखार वतलो. निमाणें, सरकार जितल्यो बऱ्यो येवजणी करीत रावतलें तितले 'वायट'च जातलें. प्रत्येक नागरीक जबाबदार जावचो आनी ताचो गुणांचो विकास जायत रावचो हातूंच खरी लोकशाय आसा.

(देशभक्त आचार्य विनोबा हांच्या लोकनीती या ह्या हिंदी ग्रंथाच्या पयल्या दोन प्रकरणांचो आपरोस)

-❀-

' व्हंकल पावणी '– एक नियाळ

–प्रा. उल्हास पं भाटीकार

' धर्तरी अजून जियेताली ' धरून ' व्हंकलपावणी ' मजगती श्री. केणी हांणी शेकड्यानी कथा बरयल्यात. खूबशो कथा शेणल्यात. खूबशो दखल घेवपासारख्यो न्हय म्हूण ताणींच ना केल्यात.

तंत्रशुद्ध कथा कशी बरोवची हें श्री. केणी हांचेकडल्यान शिकचे मोजकीच पात्रां, मोजकेच प्रसंग आनी साद्या सरळ भाषेच्या प्रसन्न अविश्कारांतल्यान ताणीं कथानकां फुलयल्यांत, तांच्या लेखणेन उक्तायिल्ली पात्रांची भावजीण वाचल्यांचे मन ओडून घेता.

प्रतिकांचो वापर करून कथेंत आशय दिवपाचो गुण जसो तांच्या कथेंत दिश्टी पडटा तसेंच सूचकता आनी नेमकेपण हे गुणय वाचप्यांचें मन आकर्शित करतात.

केणी हांच्या प्रतिभेक भुंयभाशेची झर मेळ्ळचा. ' भुंयभाशेचो संबंध सोडून ललित साहित्य पोसवंक पावना ' अशे श्री. लक्ष्मणराव सरदेसाय हाणी ' कथाशिल्प ' हे आपल्या सम्मिक्षेच्या पुस्तकांत म्हळां ते श्री. केणी हांच्या कथांचो आवाट पळेनाफुडें पट्टा.

तांच्या कथेत ' रॉमेन्टीझम ' भरसून गेला. चडशा कथांनी ताचे दाट–पातळ रंग दिसतात. तांचो पिंडच काव्यात्म. तरळ कल्पना आनी हळवार भावना भिरमुटेभरोन वाऱ्या वांगडा वोतांत भिर-भिरतात आनी भौतेक कथांतची पात्रां संद मेळ्ळी रे मेळ्ळी सपनांत गुल्ल जातात.

संपादक नेमान बरयता तितले कोणाकच बरोवचे पडना अशे म्हळ्यार लटिक जावचेना. अग्रलेख, ल्हारार–ल्हार, गोंय आनी गोंयकार मनोगता, शाळांची संमेलना, सभा, शिबिरां, सूत्रसंचालनां अशा विगड–विगड मळावेलें श्री. केणी हांचे बरोवप आनी उलोवप हांचो अदमास जाल्यार श्री. केणी हांच्या तोंडार ' ब्रहस्पती ' आनी ' सरस्वती ' बसल्यात काय कितें असो दुबाव येता.

साहित्य अकादमी तसरिप फावो जाल्या ' व्हंकल–पावणीत ' वट्ट वीस कथा आसात. एका बागेंत तरातरांची फुलां आसची. खंयचेय एक फूल काडचे. काडिल्लेंच फूल सौंदर्याच्या नदरेन एक पूर्ण फूल आसचे. तांतून कायच उणेपण मेळना. तशें व्हंकलपावणी-तली खंयचीय कथा वाचपाक घेतली जाल्यार कथेच्या आविल्या तंत्रात ती बसता.

व्हंकलपावणी

हें कथेचें शीर्षक कथाझेल्याचे शीर्षक जालां हाजेवेल्यानच कथेच्या उंचायेविशी अदमास बांदप शक्य आसा. जाण्टे पिरायेक पुताचो संसार थाऱ्यार पडनाफुडे वेगळे भिराड करून नव्यान जीण जियेवपाची इत्सा बाळगुवपो आवयबापायचो ही कथा.

जातीभायर लग्न करून नव्या संसाराक आरंभ केलो. जाण्ट्या आवय–बापायक सांबाळण घेवन आदर्श संवसाराचे सपन पुराय करतना चाटपेटवल्याक खस्ती खाल्यो. कारण तिच्याच उतरानी सांगप म्हळ्यार ' प्रस्न म्हज्या सुखाचे न्हय... विगड–जातीमदल्या लग्नांच्या फुडाराचो.'

श्री. केणी हांणी कौटुंबिक जीवनाचे भावनात्मक चित्र रंगयिल्ले हे कथेत पळोवक मेळ्टा.

जीण आपणांक जाय तशी जियेवक मेळ्ळीच ना. बापुय आनी आवय हातुणार पडली तांगेले निस्तारता म्हणसर भुरगो जालो. ल्हानाचो व्हड जालो आनी एक दिस तोय मोगांत पडून लग्न जालो. बऱ्या सभावाची सून मेळ्ळी पूण संसाराची वाट चलतां–चलतां ती म्हातारी जाली हे सांगतना लेखक म्हण्टात ' मोगाची कळी पुरती फुलचे आदीच बावली आनी सुकून गेल्या रूकाक आनकीत कोमरी फुटची आनी तो पालवेचो, फुलचो तशी गत्त जाली.' शेणिल्ली जीण सोदून काडूंक नव्यान जीयेवयाचे सपन ताणी पळयले. आनी पूत-सूनेच्या आग्र्याक जुमानीनासतना आशाढांतल्या पावसांत एके सत्रेतली व्हंकल पावणी गेली.

जाण्ट्याची दुर्लक्षीत समस्या हे कथेत लेखकान वेस बरी मांडल्या. जाण्ट्याखातीर स्नेहमंदिरा बांदपाच्या वावराक गोयांत जे बळगें मेळ्ळां तातूतल्यान ही समस्या सुटावी जातली अशी आस्त आसा.

पोस्ट मॉर्टेम

अविश्काराच्या दृष्टीन सुंदर म्हूण बोट दाखवपासारखी ही कथा.

गोंय हो जात्रा–फेस्तांचो वावर. जुवान चले–चलयांचे प्रेमाचे धागे जात्रा फेस्तानी चड जुळटात अशे म्हळ्यार लटीक जावचेंना. जांवावलेचो शिगमो तर प्रसिद्ध ! शाळा मास्तरांचो चलो माधव कामत M. B B. S. जाता. जांबावले गुलालाक ताजी मिनाक्षीकडेन वळख जाता. पणजे सावन मडगवां येतना आपल्या स्कूटरीर तो कुट्टाळे तिका लिफ्ट दिता. व्होल्ताव्होल्ताचे रस्ते, वाट हेरादारी आनी सुमार पंधरा किलोमीटरचो प्रवास जुवान चलयेक फाटल्यान बसोवन करतना भाव–भावना कशो उचंबळून येतात हाजो गोड अणभव ज्यानी घेतला तसोच माधवय घेता. मागीर सिनेमाघरांत, कोलव्या मागे पिकता. लग्नाचे उत्तर दिवन माधव सर्जरीचे शिक्षण घेवपाक अमेरिकेत वता. मिनाक्षीक चार पत्रा बरयता पण जाप ना. गोंयात येता तेव्हा ताका मिनाक्षीचे लग्न जालां म्हूण कळ्टा.

रातीन पाटर्यो करप, उसरा लंवडत घरा येवप हे आजकाल ल्या हुद्दयावेल्या आनी दुडवाकार लोकांचे व्हडपणाचे लक्षण ानी भूषणय ! डॉ. माधवय ताका अपवाद ना. विस्की जिरयता– जिरयता मिनाक्षिय पार्टेक आयिल्ले ताका दिश्टी पट्टा. इतल्या सांउप्रान्त ताका तो पळयता आनी भावना चाळवतात. ताका ाप करीन म्हणसर एक दादलो मिनाक्षीच्या कमराक हाताचो विळखो घालून ताका घेवन वता.

दुसरेच दिसा रजा काडून घरा राविल्या माधवाक पोस्ट–ार्टेम करचे पट्टा. तेन्ना तो कोसळटा आनी ते मडयाची आनीक विटंबणा नाका म्हूण 'नेचरल डेथ' अशें सर्टिफिकेट दिता. ती कूड मिनाक्षीची आसता. तेच रातीकडेन ताजो घोवान खून केला काय नी आत्महत्या हे वाचप्यान आपले बुद्धीन थारावपाचे.

एन्यनी आनी क्लिओपात्राचे मोगासंबंधान शेक्सपियरान बरयिल्ले. First love is the love Secondly the sense of love is already lost.

हे विधानाची याद जालेबगर रावना.

नाते रगताचे

साहित्य अकादमी तसरीप फावो जाल्ले 'कर्मिलीन' कार दामोदर मावजो हाणीं ही कथा तंत्राचे नदरेन विसवादी अशे म्हळां. भाकरी थापूक घेतिल्ले पीठ पातळ जावचे आनी ताजे पोळे करचे आनी तरिकय पोळे बेसबरे लागचे अशी ही कथा.

गौरी हे पात्र कथा घडयता म्हण्टासर लकव्या कथेत रिगता आनी निमाणे कथेचो नायक जावन कथा सोपयता. एका रूळावेल्यान घडघडत आयिल्ली गाडी अकस्मात रूळ बदलून स्टेशनार येवन उभी राविल्लेवरी दिसता.

लेखकाचो मित्र पुडंलीक ताजी बायल गौरी नक्षत्रावरी. पूण तिजी कूस फळना. देवय कितलो दुष्ट! तो एका हातान दिता आनी दुसऱ्या हातान नागयता. गौरीक 'ऑपरेशन' करतना रक्त जाय पट्टा. ते ग्रुपाचे रक्त दिवपाक लकप्पा घाटी आपुखुशेने तयार जाता. पुंडलीक घाटयाचे रक्त घेवपाक तयार नायना तेन्ना लकप्पा म्हण्टा– 'साब, रगत एकच आसता. शाण्याचे, पिशाचे, घाणेंतल्या मनशाचे आनी सुंदर मनशाचे लेगीन एक रगत!'

'म्हजी जुवान चली मोटारीपोंदा पडून हॉस्पिटलांत व्हेली तेन्ना तिका रगत जाय आसले. हांव दिता आशिल्लो पूण ते पयलीच तो मेली. आज हावें रगत दिवन म्हज्या चलयेक वाचयल्या! केदे व्हडले Universal Truth आनी brotherhood हें!

ओली पाखां

घटस्फोटा उपरान्त कोर्टान दिल्ल्या निर्णयाप्रमाण एक मान चली कांय दिसाखातीर बापायसरीं रावपाक येता, आनी सुटी सोपोवन ते परते आवयसरी वचपाचो वेळ लागी पावला तेन्ना बापायच्या काळजाची अवतिकाय जाता ती इतली सोबीत मांडल्या की वाचल्याच्या काळजाक विळव पट्टा.

याद आसा ?

एक वर्स पयली रेल्वेन गोयां येतना त्या सात–आठ वरांच्या रेल्वे प्रवासांत जे सुंदर आंकवार चलयेन लेखकाक Company दिल्ली ती चली लेखकाक पणजे सचिवालयालागी रस्त्याच्या दुसऱ्या कडेक दिश्टी पट्टा. रूपान सुंदर! एक फावट पळेनाफुडे चोरून परत पळवची कशी दिसता अितली सुंदर! तिची पाठलाग करीत लेखक साकोळयाकडेन पर्यंत येतां. फुडे ती विमान कुपांत विरून वता तशी नाच जाता. 'याद आसा?' अशे विचारपाचे थारावन लेखकान तिजो पाठलाग केल्लो आसता.

तरुण मनाचे उमळे हे कथेंत आसात.

रिना जोझेफ

रुतीमन परिस्थितीच्या कात्रेत सापट्टा तेन्ना त्या जीवाची पखड कशी जाता हे रिना जोझेप या कथेंत कळ्टा. काम्वाला सावन गोंया येनाफुडे ती लेखकांच्या कॅबिनात येवन नोकरी मागता. आपली कर्मकाणी सांगता. रडटा. मदीच हांसता. श्रावणांत अचकीत पावसाची दडक पडनाफुडे वयर चकचकीत वत येता तशी. खंय-च्याय तरनाटचा चलयेक नोकरी दिवचीच दिसल्यार बालवाडी उघडून कांय लोक एकटचाक पोटाक लावपाचे समाजकार्य करीनात तशे लेखक घरांतल्या पडवेंत के. जी. क्लास सुरू करण्याचो विचार करता. शेवटा नाका त्यो कटकटी. आपुणय तिच्या जाळचात फाखत म्हूण लेखक तिका १०० रुपया दिता. तेन्ना ती लेखकाक सांगता 'तुवे तुझे सभ्यपण सांबाळपाखातीर म्हजे चारित्र्य पावणेर काडले. पूण तुका कांयच दिलेबगर तुझे पयशे हांव कशे घेवं? हांवें तुका ह्या आदीच सांगलां म्हाका काकुळटेची भीक नाका, म्हज्या वावराचे मोल जाय'

घोव आनी भुरगो हांचो सांबाळ करपाखातीर ती धंदो करता.

वेशेच्या भोगी आयुष्याची वर्णना करतना वेशा ही पतिता, सामाजिक अन्यायाक बळी पडिल्ली. एक अगतीक बायल हो आशय हे सगळ्या चित्रणांतल्यान उकतो जाला.

मिस डायना डिसझा

डायना ही स्मार्ट तरनाटी कस्टम खात्याची मुख्य इन्स्पेक्टर, जॉनी डिमेलो पत्रकार जावन तिका मोगाच्या जाळचात आडायता. आठ दिस मोग मजा करून तिका कुवेताक व्हरून अरबांक विकता. जुवान चलयाक सादूर रावपाक हीं कथा सूचयता.

लुसी

निष्फळ मोगाची, भंगिल्ल्या सपनाची ही एक कथा. ल्हान–पणातल्यो यादी चाबडावपाची लेखकाचीं संवय ह्ये कथेंत दिश्टी पट्टा.

आमचे मदली ती

लग्नाचे कोंवीत घेवन आयिल्ले स्वातीचे केंस लेखकाचे आंगार पळोवन ताजी बायल दुबावता आणि व्हडले रामायण घट्टा. बायलांचो दुबाव कितलो खर आसता हे लेखकान हे कथेवरवी सांगला.

अनोळखी कथेत भांगिल्लो मोग परतून सांधूक शकना हे दाखयलां. पन्नास वर्सांउप्रान्त सुधाक शंकर मेळटा पूण तो एकमेकांक वळखनात. कथा मोगाची आनी लग्नाचीय हे कथेंत सोयरिकेवेळार

जण एका चल्याभुरग्याचो वेंगो काढपी सोनाली शेवटा अमेरिकेतल्यान आयिल्ले सुदेशाकडेन लग्न जाता. कांय चल्यो तारुण्याचा माळोजार कशो उडतात आनी तारुण्य सोंपपाक येनाफुडे नाचो काकुळत करित नितली थोडी ! हे सत्य कथेत हुलमता.

गुलाब

दिवाकर कृष्णाच्या कथांत जशी व्यक्तीमनांतली भावनांची आंदोलनां दिश्टी पट्टात तशीच वसंत हे ट्रक ड्रायव्हरची भावनाची कुचंबणा भोवेस तरेन केणी हाणी उक्तायल्या. वसंताली भुरगेपणातील अश्टिण गुलाब. पूण गुलाबाचे लग्न दुसरेच चल्याकडेन जाता. वसंत ट्रक घेता. ट्रकाक 'गोंयची रानी' नांव दवरता. दर खेपे दुर्भेटा गुलाबाल्या घराकडल्यान ट्रक वतना ताज्यो भावना उचंबळून यतात.

पृथ्वीराज चव्हाणांन संयोगितेक उबान्न व्हेली तशे गुलाबाक ट्रकातल्यान उबान्न व्हरचे अशे ताका खूप फावटी दिसता.

एक दिस रातचे तेवटेन एका भुरग्याक घेवन गुलाब ताका हात दाखयता. गुलाबाक केबिनांत बसनाफुडे आपली इत्सा भागोवन घेवची असो विचार ताच्या मनांत येता. पूण भुरगो रट्टा. गुलाब भुरग्याक 'बाबू रडनाका, मामांची गाडी पळेल्या मरे तुवें.' अशें समजायता. मामा हे उतर कानांत पडनाफुडे वसंत नॉर्मल जाता आनी 'गोंयची रानी' मामाची गाडी जाता.

मांडवी अशीच व्हांवता

शारी संस्कृतीत वाडिल्लो एक तरनाटो सुदेश आनी खेड्यांत वाडिल्ली ताची अडाणी बायल वासंती हांचो भावसंवाद, संवादातल्यान फुलयला.

पराजिता

हे कथेंत लेखक वासूबाबाल्या गावगिया चलयेवांगडा मोग करता आनी मुंबय शारांत स्थायिक जाता. जेन्ना तो घरा येता तेन्ना ताका फाटल्यो सगळ्यो यादी जातात. विजयान आत्महत्या करचेपयली लेखकाचे पुस्तक वाचिल्ले आसता. हे कळनाफुडे लेखक खंती जाता.

'बंड हो शारांतलो पर्याय आमूचे गोवागिरी चली बंड कशे करतली ?' असो रिमार्क लेखक मारता. तो मात्र पटना. तर गावगिऱ्या चलयांक केल्ले बंड फाटी घेवंक येनां हेच खरे.

'निरोप' कथेत गांव सोडून वचपी लेखकाच्या विचाराची कालवाकालव दिश्टी पट्टा. तर 'किस्सा मुंगिका' ही कथा पूराणांचो आदार घेवन बरयिल्ली रूपक कथा.

खेत ना खेद ना

हे कथेत 'वज्र पळोवचे आदी हांव चकचकीत थीक पळोवन भुल्ले.' असो पश्चात्ताप व्यक्त करपी संस्कारशून्य सुलक्षा साडी बदलतात तशी दादले बदलता. विश्वास असत जाल्यार लग्नाचो करार कित्याक जाय ? विश्वास सोपलो जाल्यार त्या कराराची बेडी पायांन दवरून फायदो कसलो ? असो रोख-ठोक सवाल विचारपी सुलक्षा western culture चे प्रतिनिधित्व करता. तेन्ना सुलक्षाच्या बापायक आवयची याद येता. तो म्हणटा, 'आवय भुरग्याक संस्कार दिता. बापूय फक्त मोग दिता.'

'जननी' हे मपनाळ्या कथे उप्रान्त जी 'अगभव' नावाची कथा आमा ती प्रादेशिक कथेच्या तंत्रात बसता. श्री. केणी हाचे लेखणेतल्यान आवसूव एक ग्रामिण कथा तग धरता.

गुरवार कस्तुरे वाघाच्या तावडीत सापडूनय वाघ ताका काय करिना. जिवावेल्या आकांतान भिवन कस्तुरे घरा येता आनी ती खबर वाडेकारांक सांगता. वाडयावेले लोक एक जावन वाघाक मारतात. पळयजाल्यार ती वाघिण आसता. दोन पेटे तिजे पोटांत आसतात. ही गजाल आयकून दुखी जाल्ले कस्तुरे वाचप्याच्या अंतर्मनाचो थाव घेता.

किळाच

लेखक आनी ताजी बायल वीणा कॉलनितल्या रिना-जॉनाक व्यसनांतल्यान कशी मुक्त करतात हाजो हो एक वेगळोच नमुनो ! हे कथासूत्राक मानसशास्त्राची बसकण आसा.

श्री. चंद्रकांतबाब केणी हाणी कथेच्या मळार वेगवेगळे प्रयोग केल्ले दिश्टी पट्टात तांची कथा ही थांबना. ती धांवत आसता. गरजेभायलो मजकूर खंयच दिश्टी पडना. कथेच्या माध्यमावरनी श्री. केणी हाणी समाजाक वेगवेगळी देख दिल्या आनी मार्गय दाखयला. पूण हो वावर करतना खंयच पत्रकाराचो दिष्टोप जायना. वक्रोक्ती, श्लेश, उपरोध ही पत्रकाराच्या लेखणेची आंगा वखदाक लेगित खंयचेय कथेंत मेळनाय. पत्रकार जाल्यान कथानका आपसूख लेखकाक मेळ्यात जावचे. पूण कथानकांत कथेचो जीव फुंकताना तटस्थ रावन लेखकांन जो वावर केलो, तो पळेल्यार श्री. चंद्रकान्त केणी हो वेगवेगळ्या तासांचो मनीस म्हणचेच पट्टा. पत्रकार, लेखक, वक्तो, द्रपटो राजकारणी तेयपरस बशिक मोटयाचो बरो अश्ट !

-▣-

❋ कोंकणी भाशेक उजळ फुडार आंवडेतात ❋

भोलानाथ सॉ मिल्स

निरंकाल रोड,

फोंडे-गोंय

▣ फोन : २१९ (घर)
१५९ (ऑफीस)

तो, माजर आनी बैल

– शशांक सीताराम

एक :

चार–पांच दिसांतल्यान अेक फावटी तरी तो आमच्या घरा-मुकावेल्यान लायब्ररींत वतना दिसता. विशेश कामांत नासल्यार हांव ताका हडकितां. 'यो रे, बस' म्हण्टा. तोवूय 'बस म्हण्टा जाल्यार बसतां' म्हणत येवन बसता. वर–पाउणवर बसून वता.

आयजच तो असोच दिसलो, घरा परततना.

'यो रे.'

तो मात्सो मुखार वचूनच थारलो.

'कितलीं वरां जालीं ?'

'साडेचार.'

तो सायकलीवेल्यान देंवलो. रस्त्याकुशीच्या पागराक ताणे सायकल तेकोवन दवल्ली. तो आखाड्याभितर सल्लो.

'तुवें यो म्हुणलें म्हुण आयलों. चड वेळ बसचो ना. सकाळीं भायर सरिल्लों. पोरां अुपाशी आसतलीं.'

– पोरा ?

– माजरापोरां. तीन–चार म्हयन्यांची जाल्यांत. आमचे माजरींन घातिल्लीं दोन आनी लोकांनी हाडून सोडिल्लीं दोन. हीं चार पोरां. तें माजर आनी म्हातारो बुकळो स नग. आमच्या सोप्यार येवन बसता मेरेन ताणे ही गजाल म्हाका सांगली.

तागेलें माजरांचे पिशें हांवूय जाणां.

तो पंधरावीस मिण्टा बसलो.

मदींच रान्नीर दवरिल्ल्या दुदाची याद जाल्यावरी तो अुठलो आनी चलूंक लागलो.

– पोरांक कितेंय नुस्तें व्हरून घालूंक जाय. तो सायकलीचेर दांग घालून शेंवटलो.

आपूण नुस्तें खायना पुणून माजरांपोरांक अत्र्या पयन्यान चार–आठ आण्यांचे नुस्तें व्हरून घालतलो.

दोन :

यौवन सरलें मिरवीत गौरव
अेक संपले पर्व
सहजच घडलें सर्व तयाचा
कशास वाडूं गर्व
कशास वाडू गर्व, कुणास्तव
कोणास्तव अभिमान

तो गुणगुणत सोंपणा चडून सोप्यार आयलो.

– तुका बाकीबाबांल्यो बहुतेक कविता पाठ काय कितें ?

– हें तुमचें अज्ञान. ही बाब न्हय. त्याच जोडीच्या दुसऱ्या अेका गोमंतकीय कवीली.

ताजें बाकीबाब हें दैवत, हें जाणा आशिल्यान हांवे अदमासान मारिल्लो फार सामको चुकिल्लो.

– 'कारे दिसता' दा. अ. कारे हे ताजें दुसरें आदर थळ.

– अहं... ही दत्तात्रय आंबेपणशीकाराली. तो हात फाटल्या घेवन छाती मुकार काडून नेटान अुवो रावलो. 'कळ्ळें' आनि मागीर खो–खो हांसत सुटलो.

– खरें ? तुजी ?

– हय रे. फकाणा दिसलीं ?

– तुज्या अितल्या बऱ्या कवितांची म्हाका वळख ना. तुजी वळख आमकां जाल्या ती अशी :

अज्ञांची हरिलीं मने तुडवितो–व्हाया पुढारी बडा
लोकां आज गमे फिका मजपुढें 'मोंतेर'ही बापुडा नाजाल्यार
X X X भ्याला तुम्हाला । जय तुमचा झाला
शाळेमध्यें दिवसा शिकवी
रात्री स्वमुखा स्वैरच भकवी,

अशी लोकांक तासपी. लोकांले पितळ काडपी म्हुण.

– तुका कांय खबर ना रे. गोमंतकीय मराठी साहित्य संमेलनात लेगीत अेक फावटी हांवे वाचल्या कविता ६३–६४त आसये. हांव मराठीवादी कितें ?

–ते जांव. ह्यो असल्यो लोकांली आलाखिलां काडपी कविता कित्याक बरयता तर तूं ? आता तू गुणगुणटालो तसल्यो साहित्यिक दर्जो आशिल्यो कित्याक बरयना.

–हांव बरयतां म्हजेखातीर. म्हाका आनंद मेळ्ळचार जालो. म्हाका हे असल्याच लोकांल्यो आलाखिलां काडपी– कवितांतल्यान आनंद मेळटा. तो हांव घेतां.

पुणून 'अेक संपले पर्व...' ह्यो असल्यो कविता बरयतनाय तुका आनंद मेळिल्लो. मागीर ?

– तें पयलीं. आता न्हय.

– जांव रे. अेकूण अेकूच.

– तुका अेक सांगता, पोसवण मेळ्ळचार अेकटो बा. भ. बोरकर जाता आनी खुटत रावल्यार अेकटो दत्तात्रय आंबेपणशीकार जाता.

– तें जांव. पुणून तुका केन्नाच दिसलें ना ह्यो असल्यो लोकांल्यो टिंगल टवाळी करपाच्यो कविता बरवचे परस बऱ्यो– साहित्यि कस आशिल्ल्यो कविता बरवच्यो म्हुण.

बोरकार–पाडगांवकार तुगेल्या जीबेर नाचतात मरे. तुजे बाचनात आनी बरपांत विसंगतशी दिसता.

– हे पळय, हांव कवीच. पुणून हांवे थारायलें, म्हजे कवितेक हे वाटेन व्हरचें. हांवें ते वाटेन व्हेलों.

– पुणून तुका दिसना, दुसरे वाटेन गेल्यार बरें जाता आशिल्लें म्हुण ? तेन्ना दिसलें नासत, आतां दिसना ?

ना, आयक.
नोहे सख्या कवी मी स्वप्नात रंगणारा
वा ज्ञान जीविताचें लोकांत सांगणारा
वृत्तीत चित्रकारी सौंदर्य शोधणारी
पोटार्थ हिंडणारा मी रानींचा शिकारी.

– हांव हो असों, हांव कवी, चित्रकार आसूनय अेक शिकारी,
जी साधने करीं अन
ज्या वेदना अुरीं रे

ती धाडितात मातें
रानांतुनी दरीं रे.

– तुका अेक फावट हांवे जायूली गजाल सांगिल्ली. 'त्या माजरा दोळ्यांच्या कलवंताखातीर तूं घर सोडटा? तुवें ताका हरशीं दवरून घेवचें आशिल्लें. ताजेकडेन लग्न जावन तू आमची कुळाची अब्रू अुडोवंक अुठला? तूं आमकां घणसा बैल म्हूण समजलो? आमकांय शिंगा अुबारूंक कळटात;' जायूक रातोरात गांवभायर काडपाचो पराक्रम करून ताणी म्हाका धमकी दिल्ली. हांव विसल्लों ना आजून. म्हज्यो कविता पेपरांत येतरेच 'हाजी फकाणा लेगीत आमी पैशे दिवन वाचचों पडलीं मरे बाबा!' म्हूण दुख्ख करपी हे लोक म्हजेकडेन ज्या न्यायान वागले त्याच न्यायान हांवे तांका पळयलें.

म्हजे घराक अुजो लायतल्यांक नागडो करूंक भिल्यार हांव पोकरी जाल्लों. म्हूण हांव म्हण्टा म्हाका ह्या कवितांनी आनंद दिलो.

जायूली गजाल ताणेय अेक फावट म्हाका सांगिल्ली आनी हेरांकडल्यानय म्हाका कळिल्ली.

जायू हें देवळचाचें. दत्तात्रयालो ताजेर जीव आशिल्लो. तेंय दत्तात्रयाचेर मोग करताले. दोगानीय लग्न जावचे थारायलां ही गजाल दत्तात्रयाल्या घरच्यांक आनी जातभाअींक कळ्ळी. दत्तात्रय पक्को बामण. गावांत सगळोच खवदळ जालो. दत्तात्रयाल्या जातभाअींनी रातोरात जायूक गांवाभायर काडलें. मुंबय धाडून दिवपाची वेवस्थ केली. जायूली आवयय तानूंत सामील आशिल्ली. दत्तात्रय पिसो जाल्ल्यावरी जालो. घर सोडून मुंबय गेलो. नैराश्य घेवन परत गांवात परतलो. गांवच्या लोकांल्या फकाणांचो तो विशय जालो. केन्ना केन्नाय तो म्हण्टाय बी –तेन्ना म्हजे जाल्लें लग्न जाल्यार म्हजें आयुश्यच बदलपाचें.

आंबेपणशीकार हे ताजे खरें आडनांव न्हय. तो पयलीं आचार्य. आंबेपणसाची काणीय अेकफावट ताणे म्हाका सांगिल्ली.

ह्या दत्तात्रयाल्या आनी तांच्या दायजांच्या कुळागराच्या शिमेर वट्टावेलो. असो अेक पणस आशिल्लो. ताजे घर आंब्यावरी म्हूण तो आंबेपणस अेक फावटी हांच्या दायज्यान हांका सांगनास्तना कांय पणस काडले. त्या रागान हागेल्या बापायन आनी बापोलयान अुरिल्ले सगळे पणस तन्ने–जून-झडयलें. चाचावन गोरवांक घातले. दायज्यांय अेक दिलो ना. तेन्नासान तो पणस लागपाचोय बंद जालो.

'म्हाका त्या पणसाचो अभिमान. हांव आंबेपणशीकार जालों' ताजी अुतरां.

तीन :

आज बाजारांत अेक नवी खबर आयकूंक मेळ्ळी.

रघुवीर शणै रागान तांबडो गूंज जाल्लो. च्याचे दुकानार बशिल्लेकडेन तो हातवारे करून अुलयतालो.

'फाट सोलून अुडयल्या मेल्ल्यान. तांबडी जाल्या. मनीस तो. दया काकुळट मात्तूय ना. बैल कुळागरांत घुसले म्हूण लोखंडाचे कांबीन मारप? हो खंय फेडटलो रे हें पाप? रगत गळटा रे फाटींतल्यान.'

रघुवीर शणैल्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळूंक पाविल्लीं.

–ताणे सगळेंच सोडला. भुरगीं ना बाळ. विचारतलो पाचारतलोय कोण ना. करता अेकेक खेळ.

–तागेल्या कुळागरांत आस्ता कितें रे? कितें खावन वतलो म्हूण बैलाक अितलो मारलो ताणें?

– तेंच सांगता हांव. ताका कित्याचेंच कांय पडूंक ना. तो विचारल्यार सांगतलो.

– 'कितें आसूं नासूं. बैल म्हजे हद्देंक तुजो आयलो म्हूण माल्लो.' म्हाका कितें केलें ना रे ताणे.

– आत्तां वचून केस करतां.

– तूं केस बी घेवन बसता? तो आनीक बरें जालें म्हण्टलो. कितेंय विचारूंक गेल्यार तोच सांगतलो तुका केस कर म्हूण. हांगा रावपाचो तो कादयेंत चार दीस रावन आयलो. तो कोणाक बदना रे.

– हें मारप? आमी लोकांली गोरवां आयल्यार मारिनात? पूण हें कितें रे? फाट सामकी सोलून अुडयल्या. रगत गळटा. पोटार तर हातबर लांबेचो वळ अुदेलां. हो खाटींक जावपाचो. चुकून मनीस जालो.

दत्तात्रय केन्ना बाजारांत आयिल्लो देव जाणा. तो देवळाच्या सोपणार बसून पेपर वाचतालो सदींच्या वरीच. थंडसाणेन.

शणैलो नदर ताजेर पडली. तो ताणशेत दत्तात्रयाल्या आंगार गेलो.

'आरे मेल्ल्या तूं मनीस काय म्हार रे? तूं पयशे घे आशिल्लो तुगेलें कितेंय खाल्यार. तूं रगत गळटा मेरेन वारांवान बडयता. हलकटा, तुजे पांय मोडून तुका घरांत घालना जाल्यार नावांचो न्हय हांव. म्हजेकडेन खेळटा. जिवापरस चड करून आमी त्या मोनजातीक पोसतात, तें तुवें मारून अुडवचें म्हूण? शणै कितलोसोच वेळ ताणशेत हात नाचयत च्याच्या दुकानांतल्यान दत्तात्रयाकडेन आनी दत्तात्रयाकडसान च्याचे दुकानामेरेन नाचत रावलो.

दत्तात्रय अेका अुतरान अुलयलो ना. थंड पेपर वाचीत बसलो. मागीर अुठून नुस्तें विकतात थंय गेलो अेक आठ आण्याचे करमट घेवन सायकलीचेर दांग अुडोवन घराकडेन शेंवटलो.

चार :

आज आनीक अेक खबर आयकूंक मेळ्ळी.

दत्तात्रयाक बैलान मारून ताका हॉस्पिटलात व्हेला.

घडलें अशें खंय.

भगवंतालो मारकुरो बैल दत्तात्रयाल्या कुळागरांत घुसलो (वयंआडो नाशिल्ल्यान खंयचेय जनावर ताजे कुळागरांत घुसताच) हो सदींचे संवयेन वारांव घेवन ताका मारूंक आयलो. बैलाचे आंगार धांवन गेलो. शिंगार घेतलो, घुंवडावन अुडयलो. फातरांचे राशीर वचून पडलो. कमराक बरोच मार लागलो. अुठूं बसूं जायना खंय. घरांत आनी कोण ना. मागीर शेजारचे येवन ताणी हॉस्पीटलांत व्हरून घातलो खंय.

आज कितलेशेच बैलांच्या धनयांक थंडसाण मेळटलो.

पांच :

आज म्हयन्याउपरान्त तो आमचेवटेन दिशिल्लो.

आपयलो,

आयलो.

सोपणारूच आमचें अेक माजरापोर न्हिदिल्लें. घरांत भितर सरतना ताणे पिलाक अुकलून घेतलें. पोटाकडेन घेवन पोशेंलें.

– दोळे पुरवल्या मरे हाजे. दोळ्यांत थेंबबर खोबरेल घालूंक जाय आसलें. अिल्लो कापूस तेलांत भिजोवन हाड पळोवया.

त्या माजरापोराक पोशेता तें पळोवन म्हाका कितशेंच जालें. ह्या दिसांनी ते दिसातल्यान कितलेशेंच फावटी हागतालें. दोळे पुखल्ले. केसय झडूंक लागिल्ले. पळोवक हळशिकें दिसतालें.

हांवें ताका तेलांत भिजयल्लो कापूस हाडून दिलो. ताणे पिलाले दोळे पुसून काडले.

– आतां कसो आसा तूं.

– बरो आसां.

– चड मार बसलो खंय तुका !

– आता वय जालें ना रे. फाल्यां नोव्हेबरांत एकावनावें लागतलें.

– हाड बी मोडलें ना मरे ?

–तशें कांय ना, पुणून फातरांचेर पडिल्ल्यान धाडावलों हांव. अुठूंक जायना जालें. ना–नाजाल्यार त्या बैलाक सोडिनाशिल्ल हांव. शिंगा मोडून घालतां आशिल्लों. म्हजे तावडीतल्यान तो दीस सुटलो म्हूण चड वायट दिसता. पडून कमराक मार बसल म्हूण हरकत नाशिल्ली... हें अशें कित्याक जाला रे? साम हाडकुटें जालां.

– ल्हानपणांतच आवय मेली तागेली. हे दिसांनी तर दीसब हागता.

– फाल्यां अेक मूळ दितां तुका हांव. ताकांत झरोवन घाल गांवठी तूप आसा ? अिल्लें अिल्लें खावंक दी ताका.

– केसय झडूंक लागल्यात. पळोवंक लेगीत हळशीक दिसता मेल्यार तरी दोळेमुकार दिसना आशिल्लें.

– अितलें दिसता जाल्यार हंवूय घेवन वतां ताका. बरे जातलें तें. जितें नुस्तें घालूंक जाय. तांचे स्वाभाविक अन्न तें. हांवे कसली माजरां वांचयल्यांत जाणा. तेत्तीस माजरां अेकावेळार आशिल्ली आमचे घरांत.

म्हजे बायलेन हाडून दिल्ली च्या घेवन तो गेलो. वतना अपुरबाय करीत माजराचे पिलाकय घेवन गेलो.

(हांतूत घेतिल्ल्यो कविता रामकृष्ण खांडलेकार हांच्यो आसात.)

–✿–

घुसमट

(पान २० वेल्यान)

पडले.' ताणे मान सकयल घालत म्हळे.

'आगो विनी ताजेकडेन सगळे सगळे आसले शिक्षणांत इंजिनीयर, जातपात तुजीच, पैशाक पैसो आशिल्लो. वयानय बरोबर, आनी दिसपाक हँडसम ताजेभायर चलयेक कितें जाय आसता ? –हांवे उतरां उक्तायत म्हळे, 'हय' ताणे उलोवंक सुरवात केलो. पूण हे सगळे आसून उपेग कितें ? मुख्य तेंच ताजेकडेन नासले. मागीर कितें ते शिक्षणाचो उपेग ? कांय वेळ ताणे दोळे धांपून तकली सकयल घाली आनी हांवे ताजे खांदचार हात दवरून म्हळे, 'विनी विसर ते आता सगळे, ते म्हणून, घडिल्ले विसरप खूपच कठीण सुविध ! म्हजे सगळे. भावोजीवांगडा बाबान ताका अेक दीस जेवणांक आपयलो तर ताणे कशे जेवचे ? अेदेव्हड विसवणापोस्त ताणे बिस्कीट कशे खाले. म्हजी म्हाकाच लज जाली म्हजे भाच्याचे पयलें वाढदिसाक म्हजे भैयान ताका मुजरत वचन आपयलो तर ताणें प्रेझेंट कितें दिवचे ? अॅश ट्रे ! सुविध तूच सांग हो एका वर्साचो म्हजो भाचो कितें शिगार ओडटालो ? सिनेमा नाटकाक जर वचत तर चलपाक शिस्तच नासली. उलोवंक तर नासलीच. गार्डनात बसत तर थंयचे तण तोडून दोंगर करप, फुलां तोडून म्हाका दिवप, वेळेर वच तर थंय कोणालेय भुरग्या फाटल्यान धावप, कितें ही पिशेपणा ? हांवें ताका सरळ. ऑफीसात फोन करून नकार कळयले आनी म्हजे मामान आपल्या मेवण्याकडेन म्हजी सोयरीक व्हेली. रोकडेंच सगळे जमले. तशे बोवाळ करीनास्तना म्हजे लग्न जाले. ताणे म्हजे नदरेक नदर दित म्हळे,

'बरे जालें काय बरो दोतोर मेयळो तुका.' हांवे उठून सरबत केले. त्यावेळार ते म्हजे मांयचे कुडीत बसूंक गेले. कांय वेळान म्हजे भुरग्याची मस्ती, जीवनाची धडपड, आनी श्रम. आईकडच्यान आयकून कुडीतल्यान येत म्हणू लागले, 'कितें आसले गो तूं सुविध मम्मी डॅडीचे म्हन्यात ! आनीक हे धावते जीवीत जगतना फाटले येवजूंक तरी वेळ मेळटा हय गो तुका ?' विनी हे आता फुडले हे जगपच अशे. हातूंत मजा आसा, खरेले सुख आसा. कांयवेळ सरबत पितना उभ्यानीच उलोवन म्हाका आनी हांका आपल्यागेर आपोवन वचूंक गेले. म्हाकाय कामाचो हुस्को नाशिल्ल्यान, हॉलात हांव येवजीत उरले. आपूण इंजिनीयर तेन्ना बायल ग्रॅज्युअेट आसूकच जाय म्हूण रमेशान विनीकडेन खूप हट्ट धरील्लो. पूण ह्या असल्या अन्नाडचाक जाका चार चौघात पावलच दवरूंक कयण्ण ताका बायलेचे शिक्षण कितें कपलार मारूंक ? अशी अक्कल घाण दवरील्यांक अितल्यो बढायो कित्याक ? बायलेचे शिक्षणांत कितें हाका अक्कल येतली ?

घड्याळीचेर नजर गेली. सांजवेळची स जावन गेली. हे येवपाचे जाले ह्या हुस्क्यान हांवे रानचेकुडीत पावल दवरले. हांचे आवडीचो घरावे तूपाचो मचमचीत शेवयांचो सांजो करपाक. भौवन भौवन विनी अनिल येवजताली. पूण विनीच्या म्हन्यात अनिलाचे बदला त्या रमेशाची मुर्त दिसताली, रमेश लग्न जालो काय ? अजून तो ग्रॅज्युअेटच चल्यों सोदित आसा ? दारावेलें बॅलीन हांव भानार आयले. दार उघडून पळें तर हे दोन नाटका तिकेटी घेवन दारांत उभे आसले.

–✿–



"केन्द्रस्थानी बसलेल्या वीस लोकांद्वारा
खरी लोकशाही चालू शकत नाही. प्रत्
खेड्यातील लोकांचा लोकशाहीत सहभ
असला पाहिजे. —गां

लोकांच्या हाती सत्ता

प्रमुख वैशिष्ट्ये

पंचायत राज्य विधेयक

- गाव, गट व जिल्हा पातळीवर पंचायती
- तिन्ही पातळीवरील सर्व जागा निवडणूक आयोगाच्या देखरेखीखाली थेट निवडणुकांनी भरल्या जातील
- पंचायतीची मुदत ५ वर्ष असेल एखादी पंचायत मुदतीआधी विसर्जित करण्यात आली, तर सहा महिन्यांच्या आत निवडणुका घेतल्या जातील.
- अनुसूचित जाती/जमातींना त्यांच्या लोकसंख्येच्या प्रमाणात आरक्षण
- महिलांसाठी ३० टक्के आरक्षण
- पंचायती सामाजिक न्यायासोबत विकासासाठी स्थानिक योजना तयार करतील व अंमलात आणतील
- पंचायतींना कामांसाठी पुरेसा निधी दिला जाईल.

नगरपालिका विधेयक

- नगर पंचायत, नगरपालिका आणि महानगरपालिका या तीन प्रकारच्या नगरपालिका स्थापन करायची तरतूद
- निवडणूक आयोगाच्या देखरेखीखाली थेट निवडणुका मुदत पाच वर्ष
- कोणतीही नगरपालिका मुदतीआधी विसर्जित करण्यात आली तर सहा महिन्यांच्या आत निवडणुका घेतल्या जातील.
- सेवाभावी व्यक्तींना आपल्या वसाहतीची सेवा करण्याची संधी देण्याची वॉर्ड समितीत तरतूद
- स्थानिक संस्थांना सत्तेचे प्रभावी हस्तांतरण
- नियोजन प्रक्रियेत स्थानिक संस्थांची जास्त मोठी भूमिका
- नगरपालिकांना पुरेसा निधी

विकास आणि लोकशाही लोकांच्या दारी पोचविण्याचा क्रान्तिकारी उपाय